# लोकाभिमुख सुशासना वटेन...



यतीश अ. नायक



यतीश अ. नायक,
जल्म - 14 फेब्रुवारी 1985;
जल्मथळ परवरी, बार्देश गोंय
हे कायद्याचे शाखेंत गोंय
विद्यापिठांत भांगरा पदक मेळोवन
उत्तीर्ण. नागरी तशेंच फौजदारी
खटले हाताळटात. सुशासन
आनी आसपावीत वाड हांच्या
जैताची लागणूक आशिल्ले
उमाळ्यान वावुरपी समाजीक -
राजकी कार्यकर्ते. आमच्या
राजकारणाक आनी प्रशासनाक
पिडपी जायत्या समस्यांचेर तांचें
चिंतन चालू आसता. ते
अस्खलीत लिखाण करतात
आनी प्रभावी वक्तेय आसात. ह्या
गुणांक लागून ते भौशीक
तोखणायेक पात्र थारल्यात.

# लोकाभिमूख
# सुशासना वटेन...

यतीश अ. नायक

BROADWAY
PUBLISHING HOUSE

# लोकाभिमूख सुशासना वटेन...

**यतीश अ. नायक**


पयली आवृत्ती : **2018**

**उजवाडावपी :**

BROADWAY PUBLISHING HOUSE

**लिग्रेचर स्टोअर :**

1लो माळो, आशिर्वाद बिल्डींग, काकुलो आयलंड लागी,

18 जून रोड, पणजी-गोंय

फोन : 2420677, 6647037, 6647038,

फॅक्स : 6647038

Wabsite : www.bbcbooks.net Email : bbcbooks@rediffmail.com



All rights reserved. No parts of this work may be reproduced, stored in the retrieval system or transmitted in any form or by any means, electronic, mechanical, photocopying, recording or otherwise without prior written permission of the copyright owner.



ISBN **: 978-93-84298-81-4**

**मोल : ₹ 295/-**

**छापपी** : रामा हरमलकर (9326102225)

मुखपृष्ठ : **कपिल म्हार्दोळकार**

भितरलीं चित्रां : **शिवदास तारी**

# अर्पणपत्र

आमचे घटनेंत वशिल्ल्या समाजवादी,
धर्मनिरपेक्षताय, लोकशाय आनी समानताय
ह्या तत्वांचें स्मरण करून ह्या म्हान देशाच्या
दर एका नागरिकाक हें पुस्तक ओंपलां

# उपकार

सुशासन आनी संविधानीक लोकशाय हांचो सोद घेवपांत हांवे केल्ले जिद्दींतल्यान ह्या पुस्तकाची निर्मणी जाल्या.

आवयभास कोंकणींत हांवें म्हजे तांकी प्रमाणें हें पुस्तक बरयलां. आमच्या देशाचे लोकशायी आदर्श दोळ्यां मुखार दवरून काळजांतल्यान कागदार देंविल्लीं हीं उतरां

हें पुस्तक वाचप्यांच्या हातांत दितना हांव देवाचे, घरच्यांचे, इश्टांचे आनी बरें मागप्यांचे आशिर्वाद मागतां. श्री. मिनीन पिरीश, श्री. दामोदर घाणेकार आनी श्री. जय उत्तम नायक हांणी ह्या पुस्तकाक हातभार लायलो म्हणून तांचे उपकार मानतां. ह्या पुस्तकाची प्रस्तावना बरोवन दिल्ले खातीर नामनेचे शिक्षणतज्ज्ञ आनी साहित्यीक श्री. सुरेश गुंडू आमोणकार हांचे उपकार मानतां. तशेंच, प्रकाशनाचो भार घेतिल्ले पासत ब्रॉडवे पब्लिकेशन हावसाचे श्री. खलील अहमद हांचेय उपकार मानतां. पुस्तक तुमचे पसंतीक उतरतलें अशी आस्त बाळगितां.

**– यतीश अ. नायक**

# प्रस्तावना

बाब यतीश नायक हांणी राज्यशास्त्र ह्या विशया वयलें एक म्हत्वाचें पुस्तक कोंकणींत बरोवन कोंकणी साहित्याची मोलादीक सेवा केल्या म्हणून तांकां परबीं फावतात. हरशीं राजकी मळार जे कार्य करतात तांचो हेत राज्य प्रशासना पुरतोच मेरावल्लो आसता. बाब यतीश हे बाबतींत आडवाद थारल्यात. कित्याक तर ते राजकी मळाचेर सक्रीय वांगडी आसातूच; तेच बराबर आपल्या कार्यांतल्यान आयिल्ल्या अणभवांतल्यान तांणी लोकाभिमूख सुशासनाचेर एक उपयोगी पुस्तक बरयलां. शेकीं प्रत्येक नागरिकाचो – जावं तो राजकी कार्यकर्तो वा तो मतदान करपी नागरीक – एकूच उद्‌देश तांचे मुखार आसपाक जाय – तो म्हणल्यार आपल्या राज्याची आनी पर्यायान आपल्या राष्ट्राची उदरगत घडोवन हाडप आनी तातूंतल्यान लोककल्याण साधप. अडेज हजार वर्सां पयलीं गौतम बुद्धान 'बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय' हो मंत्र आमकां दिल्लो हें आमी लक्षांत दवरपाक जाय.

स्वतंत्र भारतान 26 नोव्हेंबर, 1949 ह्या इतिहासीक दिसा एक सार्वभौम लोकशायी गणराज्य घडोवपाचें उद्‌दिश्ट दवरलें. ते वरवीं स्वातंत्र्य, न्याय आनी समानताय ह्या तत्वांचेर आधारिल्लें संघराज्य घडयलें. फाटलीं सात दसकां आमी सगले भारतीय नागरीक त्या

तत्वांचे सफळटायेचे वाटेन फुडें वच्चेलो यत्न सातत्यान करीत आसात.

भारत स्वतंत्र जातकूच, कांय परदेशी राजकारण्यांनी भारतांतली लोकशाय सफळ जावची ना आनी कांय वर्सां भितर भारतांत अराजक माजून ताचे कुडके जातले अशें भाकीत केल्लें. तातूंत इंग्लंडाचे माजी प्रधानमंत्री विन्स्टन चर्चील हे एक आसले. त्याच चर्चीलान राज्यपद्दतींचेर आनीक एक विचार मांडला. ते म्हणटात, खंयचीच राज्यपद्दत परिपूर्ण नासता, पूण तातूंतले तातूंत लोकशाय राज्यपद्दत हीच सर्वोत्तम आसा.’ भारतीय नागरिकांनी आनी तांणी वेंचून दिल्ल्या लोकप्रतिनिधींनी आपल्या कार्यांतल्यान हें प्रभावीपणान सिदद् केलां. भारतीय राज्य संविधान हें थोर विधीतज्ज्ञ आनी महाकायदेपंडीत डॉ. भीमराव आंबेडकर हांच्या मार्गदर्शना खाला सिद्द जालें आनी तें यशस्वीपणान अंमलांत हाडपाचें कार्य – कार्यपालिका, विधीमंडळ आनी न्यायपालिका ह्या तिनूय संस्थांच्या सहकारान संविधानाच्या तत्वां नुसार चलोवचेलो फाटलीं सात दसकां यत्न केला. ह्या तिनूय संस्थां वांगडाच प्रसार माध्यमां हो लोकशायेचो चवथो खांबो. ह्या चारूय खांब्यांचेर लोकशायेची बुन्याद घट्ट उबी रावता. ह्या चारूय संस्थांच्यान एकामेकाचेर नियंत्रण दवरुन राजकारभाराचो समतोल सादूं येता.

ह्या पुस्तकांत कुल्लीं णव प्रकरणां आसपावल्यांत: (1) सुशासन हो मार्गदर्शक झोत, (2) आमची राज्यवेवस्था आनी आव्हानां, (3) लोकशाय आनी वेंचणुको, (4) आव्हानां आनी फुडारपण, (5) सुधारणांची गरज, (6) आसपावीत वाड आनी भौशीक कल्याण,

(7) शेणिल्लें वैभव मेळयतना, (8) लोकशायेंत नागरिकांची भुमिका आनी (9) आमचें उद्दिश्ट. ह्या माथाळ्यां वयल्यान बाब यतीशान कितल्या विंगडविंगड विशयांक स्पर्श केला आनी पर्यायान वाचकांक मार्गदर्शन कशें केलां हाची कल्पना येतली.

राज्यघटना घडयतना, तिचेर संविधान सभेंत मोलादीक चर्चा जाताली. भारतांतल्या थोर राजकारणी पुरुशांनी, विचारवंतांनी आनी विधीतज्ज्ञांनी तातूंत वांटो घेतिल्लो. तातूंत डॉ. राजेंद्र प्रसाद हांणी मार्मीक विचार प्रगटावन आपल्या भाशणांत म्हणिल्लें; 'संविधानांत कितेंय आसूं वा नासूं, देशाचें प्रशासन जशें चलता ताचेर लोकांचें कल्याण निंबून उरतलें. जे मनीस प्रशासन चलयतले तांचेर पातयेवन आसतलें. ...संविधांन ही यंत्रा भशेन प्राणहीन वस्त. मनीस ताचें नियंत्रण करून तें चलयतात म्हणून तातूंत प्राण रिगता, आनी भारताक आयज आपल्या देशाचें हीत आपले मुखार दवरपी प्रामाणीक मनशां परस चड कांय नाका.'

राजकी मळाचेर वावुरपी तशेंच आपल्यो लागणुको पाळपी हेर नागरीक तांचीं हीं उतरां लक्षांत दवरून बाब यतीशाचें हें पुस्तक वाचतले आनी भारतीय लोकशाय यशस्वी करपाक हातभार लायतले अशी आस्त हांव प्रगटायतां.

परतून एके फावटीं बाब यतीश नायक हांकां परबीं भेटयतां आनी तांकां तांच्या फुडल्या कार्यांत यश आंवडेतां.

**– श्री. सुरेश गुंडू आमोणकार**

गुरू–कुंज
म्हापशें

26 जानेवारी 2018

# उद्देशिका

लोकशाय ही सतत फाटल्यान लागून मोख साधपाची प्रक्रिया. नागरिकांनी सातत्यान यत्न करून आपल्या कार्यांक, कर्तव्यांक आनी लागणुकांक पाळो दिल्यारूच लोकशायेचे आदर्श आमकां पळोवंक मेळटीत.

वयर सांगिल्ल्या संदर्भांत म्हजे विचार कागदार घालतना कांय म्हत्वाचे हुसके म्हाका सतायतात. तेच तुमचेय मतीक आनी कल्पनांक चालना दिवं अशें हांव मागतां आनी तशें घडटलें अशी अस्त धरतां. आमच्या देशान स्वातंत्र्यासावन विकासाच्या जायत्या क्षेत्रांतले वाटचिरे गांठल्यात हें खरें आसलें तरीय परमशक्ती राष्ट्र जावपाक आमी आनीक पावलां मारपाची गरज आसा. आमच्या सपनांतलो भारत प्रत्यक्षांत येवचो अशें आमकां दिसता जाल्यार ह्या पुस्तकांत जे विचार उकतायल्यात तांकां लागपी तासांचें विश्लेशण करचें पडटलें. सध्याचे राजकारणाचे आनी प्रशासनाचे स्थितीच्या संदर्भांत ज्या तासांचेर नदर मारूंक जाय आनी म्हाका बरोवपा खातीर समर्पक दिसलीं तीं अशीं –

- आमचे मायभुंयेक ताकतिकेन लक्ष दिवपाची गरज आसा अशीं जायतीं आव्हानां आसात व्हय? ह्यो समस्या पयसावपा खातीर आमी नागरीक कर्तव्यान बांदिल्ले आसात व्हय? आमच्या

देशाचे जिणेंत अशा नाजूक मोडणांचेर मोने प्रेक्षक म्हणून रावपाक आमच्या सुटकेझुजाऱ्यांचें बलिदान आनी स्वातंत्र्याच्या शिल्पकारांचो त्याग आमकां मेकळीक दिता व्हय? नागरीक म्हणून आमच्या देशाची प्रशासकी यंत्रणा आनी राज्याचे मांडावळीक बादिकार करपी पिडांचेर उपचार करपाक आमी कर्तव्यान बांदिल्ले आसात काय कितें?

- नागरीक हो केंद्रबिंदू धरून बरें प्रशासन आपणावपाक आमचे वेवस्थेक कसल्यो तरा, पद्दती, सुधारणा आनी पावलां हांची कल्पना करून त्यो आपणावच्यो पडटल्यो?
- आमच्या राजकारणान तापट वृत्तीक आडामो घालून ज्ञानाक सुवात दिवपाचो वेळ आयला व्हय? बऱ्या प्रशासनाची खात्री करून भौसाक बरे दीस दाखोवपा वटेन आमच्या राजकारणाची दिशा घुंवडावची काय कितें? भौसाक सेवा दिवपा बदला फकत सत्ता मेळोवन राज्य करप हीच आमच्या हालींच्या कांय राजकारण्यांची मोख काय कितें?

लोकाभिमूख प्रशासन आनी सुशासन हाडपा खातीरची धडपड सतत चालू उरपी अशी प्रक्रिया जातूंत आमचे लोकशायेंत आमी दरेक नागरीक कितेंय घडचे पयलींच कृती करतले तेन्नाच आमकां परिणाम दिसतलो अशें म्हाका दिसता.

आमकां एक संवेदनशील आनी प्रागतीक यंत्रणा जाय जातूंत आसपावीत वाडीक पोशण मेळटलें आनी त्याच वेळार खंयचेय परिस्थितींत भोवतत्ववादाक राखण मेळटली. सगल्यो गळट्यो आडावच्यो पडटल्यो आनी खांची पुरोवच्यो पडटल्यो. स्वातंत्र्याच्या

शिल्पकारांचे धिटायेन आनी धाडसान आंखिल्ल्यो आनी घट केल्ल्यो संविधानांतल्यो मोखी साधपा खातीर आमकां नागरीक म्हणून खर कृती करची पडटली.

लोकाभिमूख सुशासन हाडपाचे गरजेचेर म्हजे विचार मांडपाची ही कसरत. आमचे संविधानात्मक येवजणेंत आंखिल्ल्यो मोखी आपणावप भोव गरजेचें. म्हणून ह्या म्हत्वाच्या नाजूक तासांचेर आमची वेवस्था गरजेन लक्ष ओडटा.

हें पुस्तक म्हजे आवयभाशेंत, कोंकणींत, बरोवपाचो यत्न करतां कारण म्हजे भाशेक हातभार लावपांत म्हजोय खारीचो वांटो आसचो, अशें म्हाका दिसलें. कोंकणी ही आमची संस्कृताय, आंवडो आनी प्रकृती. ताकाच लागून दरेका कोंकणी भाशी मनशा मेरेन म्हज्या मनांतले विचार पावचे म्हणून हें पुस्तक कोंकणींत बरोवचेंशें दिसलें. म्हजी प्रामाणीक उमळशीक तीच तुमचीय आसतली अशी आस्त आसा.

लोकाभिमूख सुशासन हाडपाची गरज काळजांत घट धरपाची मोख हें पुस्तक साधतलें अशी आस्त दवरून उकत्या मनान आनी प्रामाणीक उद्देशान हांव तें तुमच्या हातांत दितां.

म्हज्या राज्याचे आनी देशाचे सेवेंत सदांच उरतलों.

**– यतीश अ. नायक**

पणजी – गोंय

14 जानेवारी 2018

# आसपाव


| व. क्र. | प्रकरण | पान क्र. |
|---|---|---|
| 1. | सुशासन हो मार्गदर्शक झोत | 16 |
| 2. | आमची राज्यवेवस्था आनी आव्हानां | 24 |
| 3. | लोकशाय आनी वेंचणुको | 32 |
| 4. | आव्हानां आनी फुडारपण | 42 |
| 5. | सुधारणांची गरज | 50 |
| 6. | आसपावीत वाड आनी भौशीक कल्याण | 62 |
| 7. | शेणिल्लें वैभव मेळयतना... | 68 |
| 8. | लोकशायेंत नागरिकांची भुमिका | 76 |
| 9. | आमचें उद्दिश्ट | 86 |



# 1. सुशासन हो मार्गदर्शक झोत

आमचे संविधानात्मक येवजणेंत आनी आदेशांत दिल्लें आमचें प्रास्तावीक आश्वासन दरेका वेंचून आयिल्ल्या सरकाराचेर सगल्या भारतीयांच्या आंवड्यांक आनी हावेसांक पोसवण दिवपी भारताचो सोपूत घेवपाचें बंधन घालता. आमचे घटनेंत ती स्थापन करपी आमच्या म्हालगड्यांनी घाल्ले सिद्धांत सुशासनाची हमी दिल्ली आसली, तरी सध्याची परिस्थिती त्या आंवड्यांक पोसवण दिताच अशें ना.

आमच्या संविधानीक आराखड्याच्या सक्तीच्या सांगाड्याक बांदील रावप ही आमची लागणूक. कारण संविधानान आमचेर कांय कर्तव्यां आनी भुमिका लादल्यात. अशें करतना संविधान निर्मितल्यांनी आमचेर जो विश्वास दाखयला तो नागरीक म्हणून आमी सदांच सांबाळून दवरूंक जाय. भारत भांगराळो करप आमच्या हातांत आसा आनी आमी ते दिशेन न्यायनिश्ठेन वावरूंक जाय.

आमी आमचे लोकशायी हक्क प्रामाणीकपणान आनी भक्तीभावान कामाक लायतले आनी लोकशायी कर्तव्यां पार पाडटले तेन्ना आमी राष्ट्र उबारणेचे मोखींत खंबीर जातले. आमचे हुतात्मे आनी स्वतंत्रतायेच्या शिल्पकारांच्या यत्नांक लागून आमकां मेकळो स्वास आनी विचार मेळ्ळ्यात. म्हणून संविधान जे तरेन आंखलां आनी तातूंत सांगिल्ले आदर्श मेळोवपाचे बांदावळींत तें चालीक लायलां ताच्या आवाठांत आमी कार्य करूंक जाय.

भारतीय संविधानाचे निर्मणेच्या पांवड्यार डॉ. राजेंद्र प्रसाद हांणी कॉन्स्टिट्युएण्ट असेंब्लिक उद्देशून म्हणिल्लीं गिन्यानाचीं उतरां हांगा याद करप समा जावये.

तांणी म्हणिल्लें, 'संविधानांत कितेंय आसूं वा नासूं, देशाचें प्रशासन जशें चलता ताचेर लोकांचें कल्याण निंबून उरतलें. जे मनीस प्रशासन चलयतले तांचेर तें पातयेवन आसतलें... संविधान ही यंत्रा भशेन प्राणहीन वस्त. मनीस ताचें नियंत्रण करून तें चलयतात म्हणून तातूंत प्राण रिगता, आनी भारताक आज आपल्या देशाचें हीत आपले मुखार दवरपी प्रामाणीक मनशां परस चड कांय नाका'.

आमचे प्रशासकी यंत्रणेक धरून एक पद्दतशीर पुनर्आंखणेची गरज हालींच्या काळार स्पश्टपणान भावल्या. तरी खरें आव्हान आसा तें प्रशासनाचे यंत्रणेंतल्यो कांय चोंदिल्ल्यो वाटो सदळ करून वेव्हारीक जापो आनी पद्दती सोदून काडप. तशेंच सध्याचे प्रशासकी मांडणेंत ह्यो गरजेच्यो दुरुस्त्यो आसपावीत करून

घेवप. तापसाणीचें आनी गरमेचें राजकारण कडसरावन उजवाडाचें राजकारण हाडटना एकमतान एक कार्यरत अशी प्रशासकी यंत्रणा आंखपाचो वेळ येवन तेंकला.

नागरीक म्हणून आमी देशाची एकताय आनी अखंडटाय सांबाळप हें कर्तव्य मानपाक जाय. कारण तांकां सुटकेझुजाऱ्यांच्या, हुतात्म्यांच्या आनी राष्ट्र बांदप्यांच्या रगतान एकठांय धरल्यात. आज आमी जें स्वातंत्र्य भोगतात तें स्वातंत्र्याच्या शिल्पकारांनी आमकां दिल्लें दायज हें आमी सदांकाळ याद दवरूंक जाय. सुटकेझुजाऱ्यांच्या धाडसाच्या आनी पराक्रमाच्या परिघाचो गाज आमी घुमोवंक जाय, कारण हुतात्म्यांच्या रगताक लागुनूच ह्या राष्ट्राक सार्वभौमत्व आनी अखंडटाय लाबल्या.

स्वातंत्र्या उपरांत देशांत आमचें स्वराज्य आनी प्रशासन आयलें. तरी आसतना भ्रश्टाचार, सत्तेचो गैरवापर आनी गैरप्रशासनाच्यो कांय देखी मुखार आयिल्ल्यान सध्याची सत्यपरिस्थिती विचार आनी नियाळ करपा सारकी आसा. आमच्या संविधानाच्यो मोखी कांय कडेन अवमानीत आनी दुर्लक्षीत जाल्यात अशें कांय जाण म्हणटात. सरकाराचेर एक आस्थापन आनी संस्था म्हणून अविस्वास आमच्या देशभावां कडल्यान केन्ना केन्ना मुखार सरता अशें म्हणप लटीक जावचें ना. आमचे राजकी यंत्रणे भितरल्या जायत्या जाणांक तत्वां, नितीमत्ता आनी कुशेंस हे सिद्धांत विरगळत वतात आनी आमकां हे गजालीची जाणविकाय भासता.

गैर आनी वायट प्रशासन लोकांक आवडना. म्हणून आमच्या नागरिकांनी 'यंत्रणा दुरुस्ती बांदावळ' आपणावपाखातीर झुजपाक जाय. भौसाच्या आवाजांत, सुरांत आनी तिडकींत कार्यभाराची असंवेदनशीलताय उकताडार हाडल्या. आमच्या आशिल्ल्या प्रक्रियांनी अदीक बरी कागाळ निवारक यंत्रणा आसची तशेंच, नागरिकांच्यो न्याय्य अपेक्षा आनी हावेस पूर्ण करपा कडेन पद्दती ताकतिकेन सुटसुटीत करच्यो अशें नागरीक मागतात.

सुधारणा, प्रशासन आनी सुशासन ह्या अग्रक्रमांच्या क्षेत्रांनी कार्यरत आनी वेव्हारीक निरसन सोदपाच्या यत्नांत, आमचे भोंवतणीं जी सत्यताय दिसता तिच्या कांय म्हत्वाच्या तासांनी आनी क्षेत्रांनी रिगपाची गरज आसा.

आमचे भोंवतणचे परिस्थितीक धरून वेव्हारीक विचार केल्यार एक सुधारीत, पारदर्शक आनी कार्यक्षम वेवस्था आपणावपाचो वेळ आयला अशें जाणवता. हाचोच अर्थ, कायदो आनी सुवेवस्था आपसूक रितीन चलतात अशे तरेची वेवस्था आनी कार्यरत यंत्रणा निर्माण करप. दुसऱ्या उतरांनी सांगचें जाल्यार, अदीक बरी नागरी वेवस्था येवची जातूंत नागरिकांनी कायद्याक पाळो दिवचो, असो हे रुपेरी रेगेच्या तत्वाचो अर्थ. आमी आमच्या राष्ट्राच्या नाजूक काळांत पावल्यात. आमचें अर्थकारण बळिश्ट जावंक जाय. कोट्यांनी लोकांक आशा आनी संदी दिवंक जाय. वाडीच्या उड्डाणाचे वाटेर आमचो देश सतत आनी गतीन धेंपां मारता म्हणपाची आमी खात्री करूंक जाय. ह्यो म्हत्वाकांक्षी मोखी साधपा खातीर आमकां सोंपेपणीं

बदल घडोवन हाडटा अशी प्रशासकी वेवस्था आनी शासकी यंत्रणा गरजेची. बदलाच्या मध्यस्थाची भुमिका घेवपा खातीर आमचे प्रशासकी यंत्रणेन ह्या तीन मुखेल गुणांचेर काम करूंक फावो. त्यो म्हणल्यार फुडारपण, दृश्टी आनी निपूणटाय.

एकदां आमी आसपावपी (सर्वसमावेशक) वाडीच्या तत्वांक मुरिल्लें निर्णायक फुडारपण मेळयलें म्हणटकूच राष्ट्राचे भरभराटींत गरजेचे आनी म्हत्वाचे बदल आपसूक येतात. काळाचे साणीर घांशिल्ले हे विचारसरणेक इतिहास गवाय आसा.

लोकशाय ही एक अशी मांडावळ जातूंत नागरीक हे खरे धनी. तेच राष्ट्राचो फुडार थारायतात. 1960त भारताचे पयले प्रधानमंत्री पंडीत जवाहरलाल नेहरू हांणी म्हणिल्लें, 'लोकशाय बरी अशें हांव म्हणटां कारण हेर मांडावळी तिच्याक पाश्ट'. हातूंत सगलें आयलें. कारण ते आधुनीक भारताचे एक शिल्पकार आशिल्ले. कांय टिकाकार आमचे कार्यरत लोकशायेंतल्यो त्रुटी दाखोवन म्हणटात, लोकशायेची विचारसरणी जरी समान हक्कांचें उतर दिता आसली तरी प्रत्यक्षांत समान हक्क मेळनात. कांय टिकाकार अशेंय म्हणटात की दर मताक तितलेंच म्हत्व आनी वजन आसलें तरी दर मतदाराक सरसामान्य वजन आनी म्हत्व मेळना ही वस्तुस्थिती. आमी फुडाराक बऱ्या खातीर ही गजाल बदलपाक फावो.

आमचे मांडावळींत गरिबी सोंसूंक जायना. तशेंच न्याय तिकतिकेन मेळपाक वावरूंक जाय. नाजाल्यार आमचे लोकशायेक ती मारक हें

आमकां बेगीन समजल्लें बरें. ह्या मुद्द्यांचेर रोखड्यारोखडो सुधारणेचो उपाय करप सामकें गरजेचें. आमचें संविधान म्हणल्यार, वेंचीक मनशांच्यो लहरी, कोल्लां, आवडीनिवडी हांचे प्रमाणें बागोवं येता इतलें लवचीक साधन, अशी कल्पना कोणें करची न्हय. हो आमच्या संविधानीक स्वातंत्र्याक आनीक एक घात जो आमी जायत्या फावटीं लागींच्यान अणभवला. आमचे संविधानीक लोकशायेंत कोरांतिल्ल्या तत्वांक आमची पवित्र आनी अढळ बांदिलकी आशिल्ल्यान ह्या म्हान राष्ट्राचें स्वातंत्र्य आपल्या रगतान घट केल्ल्या संस्थापकांनी येवजिल्ल्यो मोखी साधपा खातीर आमी झटूंक जाय.

आमची प्रशासकी यंत्रणा आनी बांदावळ जायत्या बरगेल्ल्या वसणूकवादी मुळावणांचेरुय आधारल्या. न्याय परिणामकारक रितीन आनी नागरिकांक पद्दतींतल्या तपशिलांत गुणवत्ता घुसपायनासतना सोंपेपणीं मेळटा अशे तरेचे संवेदनशील आनी सकारात्मक, प्रशासकी आनी न्यायीक यंत्रणेची आमकां गरज आसा. आमच्या नागरिकांक सेवा दितना तंत्रगिन्यानाचो परिणामकारक वापर जावपा खातीर आमी पद्दती आनी यंत्रणा कल्पकतायेन नव्यान सोदून काडपाची गरज आसा.

सध्याच्या कलांच्या आनी जाणवपी वस्तुस्थितीच्या भिंगांतल्यान पळयत जाल्यार कांय जाण म्हणटात, आमची लोकशाय एक ‘वेवस्थीत आनी स्पर्धात्मक धंदो’ जावपाचे दिशेन वाटचाल करता जंय मतदाराच्या मोगाचो, रागाचो, आशेचो आनी हुसक्याचो वेपार जाता. हें कांय वास्तववाद्यांचें मत सोंपेपणीं जाणा जावन घेवं येता.

ही एक हुसक्याची गजाल.

दुर्दैवान, बऱ्याच पारंपारीक भारतीय राजकारण्यांनी आपल्या आंगार टिकेचो झगो घाला. राजकारण्यां कडेन दुबावान पळोवपाची ही घातक परिस्थिती आमी जाग्यार घालूंक फावो. राजकारण हें कच्ची कला न्हय. तें एक शास्त्र आशिल्ल्यान मान सांबाळपा खातीर वेवस्थेंत विस्वास आनी भावार्थ घालून हे कल पुरायेन परतुपाची गरज आसा.

●●●



# 2. आमची राज्यवेवस्था आनी आव्हानां

नागरिकांक फावता ताचे इतलेच बरे तरेन तांचें प्रशासन आसतलें हाची हमी म्हणल्यार लोकशाय, हें कळप सामकें गरजेचें. हेच प्रणालीक लागून आमचे राज्यवेवस्थेचे यंत्रणेचो चकचक आनी तेज हीं अधोगती आनी टिके पसून सांबाळपाची खात्री करपा पासत नागरिकांचो हस्तक्षेप अदीक सयुक्तीक जाता.

सत्तेच्यो कडकड्यो बांदावळी, भावनाशुन्य प्रशासकी यंत्रणा, पक्षपातांत बुडबुडिल्ल्यो लवचीक पद्दती, पारदर्शकताय आनी जापसालदारकी हांची हमी दिवपी फावोश्या आडावण्यांचो उणाव, अनिर्बंदीत आनी बंधन नाशिल्लो विवेकाचो वापर ह्या कांय गजालींक लागून आमचे यंत्रणेंत सगल्यांत वायट तरेचो भांडवलवाद झिरपला आनी अर्थीक उसळी मारपाच्या आमच्या यत्नांतले स्पर्धात्मकतायेक आव्हान दिलां अशें टिकाकारांचें मत आसा. बेकायदेशीर लुकसाणां, गळट्यो आनी व्हांवण्यो आडावपांत आनी त्यो भरून काडपांत कांय प्रमाणात अपेस आयिल्ल्यान आमच्या देशांत गरिबी आनी

असमानताय दिश्टी पडता. हे परिस्थितीक लागून रासवळ संस्थांचें पतन जावन खाजगी क्षेत्रांतले गुंतवणुकीचें वातावरण दुबळें जालां. प्रशासकी यंत्रणेंतल्यो पळवाटो आनी दिसाधवळ्या चलपी भ्रश्टाचार हांकांय लागून अर्थीक स्थिती कांय प्रमाणांत गळसणल्या. जाप स्पश्ट आसा. सत्तेंतल्या वयल्या पांवड्यार सूर काळी पांचांचेर लागत आनी परिणामकारक कारबारी यंत्रणा आसत जाल्यारूच भ्रश्टाचार आळाबंदा येवं येता. आमकां व्यक्तीकलीत यंत्रणे परस सरसकट आनी अखंड अशी यंत्रणा जाय.

दुबळ्या राजकारणाक लागून वाडीचेर खरे न्हयकारी परिणाम जाता. तातूंतल्यान चुकीचीं धोरणां मुखार येतात वा योग्य धोरणां फाटीं पडटात. असल्या अज्ञानी आनी पालश्या राजकी विचारांचो मारो जायत रावत जाल्यार ह्या देशाची वाडीची प्रक्रिया लुळी पडूं येता. तशेंच विश्वशक्तीचे कक्षेंत वचपाच्या आमच्या मार्गाची दिशा बदलूं येता.

आसपावपी वाडीच्या दिल्ल्या उतराची भलायकेवंत कारवाय आनी साक्षात्कार हांचे खातीर आसपावणी आनी अधिकार दिवप हे बुन्यादीचे फातर. देखून, ती मोख आनी उद्दिश्ट साध्य करपाक आसपावणेचे उमेदीच्या दरेका पावलाक येवकार दिवंक जाय. तरी, फकत राजकी फायद्याचो वांटो मेळोवपाक आसपावणेची कल्पना मांडपाचो कल हें खात्रेन इत्शीत उद्दिश्ट न्हय. म्हणून आसपावणेची कल्पना पसरूंक आनी झिरपूंक राज्याची पुरवण आनी राज्याचो हस्तक्षेप हो न्याय्य आनी इत्शीक आसलो तरी, राज्याची अर्थवेवस्था सांबाळून तिका आनीक बळकट करपाची तांक आशिल्लें एक भलायकेवंत आनी सर्वसमावेशक धोरण सामकें

गरजेचें. आसपावणेच्या पावलांची चांचणी जावंक जाय आनी आसपावणेच्यो मोखी साध्य जावपा खातीर त्यो संवेदनशीलतायेच्या आधाराचेर तयार करूंक जाय हें लक्षांत धरप गरजेचें.

सर्तीचे लोकप्रीयतेची स्पर्धा आमकां घातकी कलां वटेनूय व्हरता. फुकटाणी चालीक लायतकूच त्यो फाटीं घेवप कठीण जाता, आनी आमची कुटपी अर्थवेवस्था रिणाच्या रातेरांत हातपांय बडयता. हातूंतल्यान आमकां समजतलें, बऱ्या राजकारणांतल्यान बरी अर्थवेवस्था हाडपाचें मुळावें साधन आसलें तरी लोकप्रीय राजकारणा विरयत बरी अर्थवेवस्था ना जायत चल्ल्या आनी बदलत्या काळाचे कल दाखयता आनी बिंबीत करता. अर्थीक शिस्त गरजेची. लोकप्रीयतेच्या येवजण्यांच्या उपासकांनी अदमासपत्रकांनी सतत अर्थीक तर्कांचेर जैत जोडलां ही आयची परिस्थिती. ह्या तर्कान पवित्र केल्ल्या हुसक्यांक जोड म्हणून आमच्या राजकारण्यांचें तिरकसपण तांकां ह्यो फुकटाणी वांटपी म्हणून मुखार हाडटा. तांचे फोटे पयल्या पानाचेर छापून येतात. हातूंतल्यान दिसता किर्ते की नागरीक न्हय जाल्यार ते ह्या फुकटाणीं खातीर फारीक करतात.

दीर्घ काळाचें आनी एकवटीत अशें धोरण आंखपाचेर लक्ष दिवपाक जाय. सत्ते वयले जायते जाण आपलो राजकी सुवार्थ ल्हानसान येवजण्यो करून भौसाक भुलयतात अशें आमकां हालींच्या काळांत दिश्टी पडटा. आपणाक फुडले वेंचणुकेंत परतून जैत मेळत जाल्यार ह्यो फुकटाणी चालू दवरपाचें उतर ते दितात. तांणी केल्ली सबळीकरणाची संविधानीक बांदिलकी मात ते पुरायेन विसरून वतात. अशे तरेन मतदारांचे अधिकार तांचेर फावोर केल्ले भशेन तांच्या ताळ्यांत रकोवपाचो यत्न करतात. दुर्दैवान आमचेय कांय

मतदार आपल्या भेद्यतायांक लागून आपसुवार्थी राजकारण्यांनी निर्माण केल्लो हो निर्लज्जपणाचो तर्क अचळय गिळटात. आमच्या नागरिकांनी समजुपाक जाय, हे अधिकार आमकां घटनेन भेटयल्यात. असल्या सुवार्थी राजकारण्यांनी न्हय.

आमचे अर्थीक स्थितीची डळमळीत स्थिती आमच्या धोरणकरत्यांक आनी कायदोकरत्यांक हुसक्याची थारूंक जाय. येरें आनी दुरदृश्टी नाशिल्लीं मंत्रालयां हीं तांचे अपरिणामकारक कारबारी हात आनी जायत्या पांवड्यांची नोकरशाय हांचे सयत भौशीक पयश्यांची फकत नाशाडी जावन थारल्या. मंत्रालयांचें नागमोडी कडबोळें, नोकरशायेची घुसपण आनी खात्यांची खातड हांकां लागून आंखून दिल्लो खर्च भौशीक हिता खातीर जायच ना अशें कांय जाण नदरेक हाडटात. वेंचून आयिल्ल्या कार्यकाळाचे अखेरेक चुकी सुधारपाचो यत्न कांय वेळार जायना. हातूंतल्यान कांय राजकारण्यांचो मतदारां कडलो संपर्क तुटला हें स्पश्ट जाता.

भौशीक धोरण आंखून फकत विशेशाधिकार आशिल्ल्या लोकांचें हीत सांबाळप हाणें आतां उग्र रूप धारण केलां. हातूंत शेतकारां खातीरच्या सुधारणांच्यो गांवगिऱ्या विकासांत आडखळी, मोट्या कंपनींच्या फायद्या खातीर पर्यावरणाचे लुटी कडेन आडनदर आनी खाशेल्या गटांचेर, वर्गांचेर आनी क्षेत्रांचेर विवेकहीन पद्धतींत भौशीक अर्थीक पालवाचो शिंवर हांचो आसपाव जाता. ह्या संबंदांत राजकी भ्रश्टाचार हो आमच्या देशाची अर्थवेवस्था खिळखिळी करपाक सगल्यांत व्हड हातभार लायता अशें म्हणप मातूय लटीक जावचें ना.

गरजे भायल्यो सवलती, विवेकाचो असामान्य वापर, जाका जाय तशी धोरण आंखणी आनी जाणूनबुजून दोळेधांपणी करून

खाजगी फायद्या खातीर सत्तेचो सर्रास गैरवापर केल्ल्यान आमचीं राजकी इंद्रियां पोखरल्यांत अशें विश्लेशक दाखोवन दितात. खर आनी लजेचे गरिबीक लागून नितीच्या प्रशासनान मृगजळाची आकृती धारण केल्या. म्हणून न्याय्य आनी उजू समाज घडोवपाचें कारण सामकें तेंकलां आनी ताकतिकेचें जालां. कोणे तरी म्हणलां तशें, अधिकारिणी जेन्ना दंडूकशायेची जाता तेन्ना लोकशायेचें पाड पडटा.

कांय वर्सां साकून सर्वसादारण भारतीय राजकारण्याची पत नाकान जमनीक आपटल्या, हातूंत कुसकुटाचोय दुबाव ना. कांय जाणांच्या मतान राष्ट्रीय संसदेंत तशेंच राज्यांच्या विधानसभांनी वागणुकेचो मान आनी चर्चेची खोलाय हांचेंय पतन जालां. राजकारणाचें पवित्र आनी बुद्दीवादी शास्त्र नाडबुद्दीच्या राजकारणान खदूळ करून उडयलां. काल्पनीक वस्तुस्थिती आनी काल्पनीक वर्णनां ह्यो गजाली जायत्या मतदारांचें लक्ष ओडूंक लागल्यात. गोडगुलाबी अश्या खपोवपाच्या डावपेंचांनी कुप्रशासनाचें खरें रूप लिपयलां. आदर्शांक व्हडपण दिवप चालूच आसलें तरी परिणामकारक कृती कसले ना कसले सबबीचेर केल्ली दिसना. असल्या क्लृप्त्यांनी आनी नाटकांनी केन्नाकेन्ना करत्याक सत्ता मेळूं येता आसली तरी सत्तेची नशा चडटकच ते तातूंत व्हांवून वतात, आनी मतदारां मदीं असमाधान निर्माण करतात. हातूंतल्यान आमचे लोकशायेंत कोडू घडणुकोय घडूं येतात.

भारत संवसारांतल्या विकसीत राष्ट्रांच्या कुटुंबांत वचपाचो अथक यत्न करता हातूंत दुबाव ना. आमी स्पश्टपणान दिसता ते वस्तुस्थिती कडली आमची नाळ तोडूंक फावो ना. तेन्नाच आमची सुदारणा जातली. शीम नाशिल्ले वाडीच्या आनी असंख्य संदींच्या

झगझगीत फळ्या फाटल्यानूय समकालीन भारतीय समाजाचें सत्य लिपलां. राष्ट्रपिता महात्मा गांधीक संवसार जो सत्याची देख म्हणून मानता तो ह्या इतल्या अदींमदीं कुप्रशासनांत बुडबुडिल्ल्या गजालींच्या 21व्या शेंकड्यांतल्या भारता विशीं कितें चिंत्तलो आशिल्लो ताचो विचारूच करूं नजं. विवेकाचो फाजील फायदो घेवपाच्या आनी पक्षपाताच्या कॅन्सरान पोखरिल्लें भौशीक प्रशासन, जातूंत धरून हाडिल्ल्या लोकांची गर्दी आनी आदींच थारायिल्ल्यो कार्यावळी आसतात अश्या राजकारणा विशीं तांचें कितें मत जातलें आशिल्लें ताचीय कल्पना करूं नजं.

लोकशायेचे भारतीय सयेन दुस्मानकाय पसरावन मतां घेवपी कांय राजकारण्यांक जल्माक घाल्यात हाका इतिहास गवाय आसाच. दुर्दैवान त्याच राजकारण्यांनी धर्म आनी जात हीं आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेचो आंस करपांतूय येस मेळयलां.

असमानताय पसरपा पसून आडावपाक आमकां अर्थीक आनी समाजीक नदरेन फाटसार आशिल्ल्यांक वयर काडपाची हमी दिवपी संवेदनशील वांटो आनी राखीवताय पद्दत गरजेची, कारण समाजांतल्या पात्र आशिल्ल्यांक तातूंतल्यान लाब जातलो. धर्मांत राजकारण आनी राजकारणांत धर्म हांची कांय राजकारण्यांनी दुर्दैवान भरसण केल्ल्यान तें एक घातकी आनी भग्ग करून पेट घेवपी मिस्तूर जालां हें आमकां दिश्टी पडटा. देखून आमच्या राज्याचो आनी राष्ट्राचो धर्मनिरपेक्ष सभाव सांबाळप सामकें म्हत्वाचें.

आमच्या जायत्या राजकी घटकांचें मत आशिल्ल्या समकालीन राजकी विचाराच्या कोनांतल्यान पळयत जाल्यार नितीमत्ता, वेव्हारीक आनी भविश्यांतली नदर आनी सेवा दिवपाची कृती हांचें

प्रमाण पुसट आनी धुंवराळें जायत चल्लां. आयच्या राजकारणांत जंय शर्ट बदलतात तशी इश्टांची, दुस्मानांची आनी तत्वांची अदलाबदल जाता थंय चरित्रहीण राजकारण आमचे यंत्रणेंत घुसून लोकशायेच्या उच्च मुल्यांक आव्हान दिवंक सोदता.

हो संदेश स्पश्ट आसा. नागरिकांचे तेंकिल्ले प्रश्न सोडोवपाची गरज आसा. पूण इतिहास सांगता तशें, राजकी वर्गांतल्या जायत्या जाणांक तो संदेश कोडू लागत जाल्यार ते संदेश दितल्याचेरूच गुळी मारपाक फाटीं फुडें पळोवचे नात.

सुशासन उकतें करपाच्या आमच्या सोदांत सगल्या राजकी पक्षांनी फुडाराचेर परिणाम करपी म्हत्वाच्या विशयांचेर सल्ल्यामसलतीची वाट आपणावंक जाय. राजकारणान आनी वेगळ्यावेगळ्या राजकी मतांनी सुशासनाच्या जैताचे उर्बेक फाटीं ओडूंक जायना. म्हणून फुडाराचेर परिणाम करपी राष्ट्रीय म्हत्वाच्या आनी राष्ट्राच्या विकासाच्या विशयांचेर राजकी पक्षां मदीं चर्चेची गरज आसा. म्हणून सरकारांत आशिल्ल्या आनी विरोधी पक्षांत आशिल्ल्यां मदीं एका भलायकेवंत संभाशणाक उत्तेजन दिवप सामकें गरजेचें. सल्ल्यामसलतीची कल्पना म्हणल्यार आपसूकपणान शरणागती न्हय. ती आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेंत परंपरा स्थापपाचे मोहिमे खातीर एक भलायकेवंत धाटणी हो पक्को प्रस्ताव सत्ताधारी आशिल्ल्या पक्षाक समजूंक जाय.

आमचे संसदीय लोकशायेंत आमची गिरेस्त संस्कृताय आनी परंपरा आसात त्यो सांबाळून दवरूंक जाय. त्यो संसदीय लोकशायेची सोबाय वाडयतात.

●●●


VOTE

# 3. लोकशाय आनी वेंचणुको

फाटल्या कांय दशकां मदीं संवसारान राजकी, समाजीक आनी अर्थीक वातावरणांत आकांताळे आनी फुडाराचेर परिणाम करपी अशे बदल पळयले. फाटीं पडिल्ल्या दशकांनी जायत्या मळांचेर आमकां जायते दर्शक दिले. पूण दुर्दैवान वस्तुस्थिती अशी आसा की समाजवादी कल आशिल्ल्या कल्याण राज्याचे (सोशियालिस्ट स्टेट) कल्पनेक ल्हवू ल्हवू देंवती कळा लागल्या. विकासाच्या नांवान आनी झेतान चंगळवादा वयल्या जैताची वाड हो घातकी कल. ह्या कलाच्या ल्हाराक लागून समाजीक न्यायाची कल्पना कडसरावपांत आनी अवमानपांत आनीक वाड जाल्या.

उण्या दर्ज्याच्या राजकारणान तशेंच विवेकहीन भुलोवपी निर्णय घेतिल्ल्यान आमच्या अर्थकारणाचीं तत्वां पोकळ केल्यांत. निर्णय घेवपांत जाल्ली अर्दांगवायेची स्थिती आनी पात्रताय सोडून हेर गुणांनी प्रेरीत जावप हें सत्ते वयल्या कांय राजकारण्यां मदीं सर्रास

चलता. हे प्रवृत्तीक लागून आमच्या कांय सरकारांक कांय वेळार संवकळीचे निर्णय घेवपाची लेगीत संद चुकल्या, कारण ते निर्णय संकुचीत राजकारणांत बुडबुडिल्ले आसतात, आनी सरकार ते निर्णय आमचे अर्थवेवस्थेची वाड खुंटपाक कारण जावन लेगीत घेतात अशी इतिहास आमकां गवाय दिता. हे विचित्र स्थितीक जोड म्हणून हे अर्दांगवायेचे स्थितींत आपसांत झगडपी मंत्रालयां अनमनें आनी पोकीं धोरणां हांचें घर्शण जावन अखेरेक शुन्य प्रशासन जाल्लें आमी कांय वेळार पळयलां. जे मेरेन कांय अर्थहीण मंत्रालयां आनी खातीं अस्तित्वांत उरतलीं आनी आकारान वाडत रावतलीं आनी आनीक निर्माण जातलीं, तांच्या दोगांनी केल्ल्या एकाच कार्याक लागून अदीक गोंदळ जावंक पावता. प्रशासनांत धनी न्हय जाल्यार सेवक हें तत्व आमच्या धोरण आंखप्यांनी, कायदो करतल्यांनी आनी राजकारण्यांनी सदांकाळ याद दवरपाक जाय आनी ते दिशेन कार्य करपाक जाय. भलायकेवंत धोरणाची बांदावळ आनी योग्यश्यो प्रशासकी दुरुस्त्यो केल्यार हें घडून येवं येता.

कुप्रशासना विशीं जायते खेपे समाजांत रासवळ कंटाळो आयिल्लो स्पश्ट जाणवता आनी कांय अशे तरेच्या प्रसंगांची नोंद आमच्या इतिहासांत आसा. आमची भौशीक प्रशासकी यंत्रणा आनी शासकी बांदावळ सगल्या लोकांच्यो अपेक्षा अजून पूर्ण करूंक पावूंक ना.

आमच्या भौशीक संस्थांचीं चक्रां आनी कार्यकृती यंत्रणेचीं पांखां हांकां वंगण लायत जाल्यारूच आमच्या लोकशायी आदर्शांची

विश्वसनीयताय परतून स्थापीत करपाक गती मेळटली. म्हणून आमचे राजकी मांडावळीन ह्या रासवळ कंटाळ्याच्या कारणाचो भोवव्यापक अभ्यास करून सल्ल्यामसलतीच्या आधारान यंत्रणेंतल्या दुरुस्त्यांचो सोद घेवंक जाय. ह्यो विचार केल्ल्यो, कल्पीत आनी प्रस्तावीत दुरुस्त्यो नागरिकांक आपल्योश्यो दिसूंक फावो. कंटाळ्याचीं सगलीं तार्कीक तासां वेव्हारवादाचे साणीर घांसूंक जाय. वस्तुस्थिती कडेन आमच्यांनी काटकसर करूं नजं. आदले राष्ट्रपती, डॉ. एपिजे अब्दुल कलाम हांणी म्हणिल्ले प्रमाण; 'राजकी – नोकरशायी – न्यायमंडळी यंत्रणेक कॅन्सरा भशेनची परिस्थिती आंवुळटा. हें राष्ट्राचे वाडीक हानिकारक. ह्या नाजूक समयार देशाक कॅमोथॅरपीची गरज आसा.'

सत्ता भ्रश्ट करता अशें आमी जायतेदां म्हणटात, पूण वास्तववादी आपल्या कांय देखीं सयत सांगतात तशें, सत्ता भ्रश्ट जावप्यांक ओडटा. ही गजाल घातकी कारण तिका लागून मध्यमवर्गी आनी शिक्षीत लोक आपूण जावन राजकारणांत वांटो घेवपा पसून पयस रावतात. ही परिस्थिती हाताळपाक आनी लोकांच्या विस्वासाचो उणाव भरून काडून प्रशासनाचें शास्त्र म्हणून राजकारणाचें व्हडपण परत हाडपाक राजकी वर्गान फुडाकार घेवंक जाय. ताच्यान निश्पाप बघ्याची भुमिका घेवं नजं.

आमची लोकशायी बांदावळ आनी आराखडो हांचे भितर न्याय्य समाजीक विकास जाला हें समजप आनी मानप सामकें गरजेचें. हो वाडीचो प्रकार आमच्या देशा खातीर स्त्रोताची उत्पत्ती करून संपत्तीची निर्मणी मेळोवपा खातिरूच कल्पनेंत हाडून ताची

रुजवण केल्ली अशें न्हय जाल्यार संपत्तीची न्याय्य वांटणी जावची होय ताचे फाटलो हेत आसलो. ह्या उच्च आदर्शांक लागून आमी समाजवाद आपणावन आमचे संविधानीक येवजणेंत आनी हमींत ताचो आसपाव केलो. म्हणून सामान्य मनशाचें कल्याण हो एक केंद्रबिंदूचो विचार. आसपावपी वाड मेळोवपाचे कल्पने मेरेन पावता अशें धोरण आंखपाचो ह्या विकासचक्राचो आवाठ आसप गरजेचें.

तरी, जेन्ना आमी राष्ट्रनिर्मणेच्या ह्या मार्गार चलपाक सुरवात करतात तेन्ना सध्याचे विचारसरणेंतलो भारत हो गिरेस्त देश आसाच पूण तेच भशेन प्रत्येक भारतीय धादोशी आसचो असो हावेस तडीक लागपाक जाय अशी गरज जाणवता. कल्पने भायल्या आवाठान गिरेस्तकाय सांठोवप ही स्थिती आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेक आनी भौशीक प्रशासनाचे प्रामाणीकतायेक खावन उडयता. म्हणून आमच्यांनी असो निश्कर्श काडूं येता की आमचो संविधानीक आदेश जरी समाजवादी आदर्शांक दसून रावला तरी थारायिल्ली मोख साधपा वटयां आमचें प्रशासन फावो तितलें काम करताच अशें ना.

म्हणून, प्रशासन ह्या आरोपांतल्यान मुक्त जायना आसलें तरी प्रशासनाकूच असमान विकासाच्या परिणामां खातीर पुराय दोश दिवं नजं. समाजवादाची गांधीवादी कल्पना कृतींत कार्यरत करूंक जाय. उणाक राजकी कारणां खातीर ताची जायरात करूंक जायना.

भारताच्या नागरिकांचें निजाचें बरेपण जायत्या उणाक राजकारण्यांनी गृहीत धरलां. सकयल्या थराच्या राजकारणाक लागून कांय खेपे राज्यकारभाराचे कठीण प्रसंग अर्थहीण विशयांचे

अलंकारीक भाशेक लागून फाटीं पडल्यात. अर्थकारणांतलें कांयच कळनाशिल्लीं सरकारां परतून वेंचून आयिल्लींय आमी पळयल्यांत कारण तांणी प्रशासन आनी अर्थकारण ह्या जळट्या विशयां कडल्यान चर्चा धर्माच्या विशया वटयां व्हेल्या. अशे तरेचीं सरकारां सर्वसाधारणपणान लोकांच्यो उच्च अपेक्षा आनी सुस्त सरकारी काम हांचे मदीं चिड्डता. उद्दटपण आनी अनास्था हांकां लागून तीं एक सपन जातात जातूंत तीं उफेतात, आनी आपणाक आशिल्लो सगलो विरोध मेला अशें तीं सरकारां मानतात. भारतीय तरेचे लोकशायेंत कितेंच मरना आनी तीं आपल्याच कर्मांनी पडटलीं हें तांकां समजना.

भारतांतल्या कांय वेंचणुकांनी दुर्दैवान मनशांचेर शाब्दीक हल्लो, वीख ओंकणी, मजकुरा परस चड भरडकथा ह्यो गोश्टी पळयल्यात आनी म्हणून तीं उजवाडा परस तापट चड थारल्यांत. वेंचणुको आयल्यो म्हणटकूच रासवळ हिताचे गाजपी प्रस्न कांय वेळार कुशिकूच उरतात आनी करंदायेचें झूज सुरू जाता. दुर्दैवान कांय पक्ष कल्पनांचो बाजार मांडटात. हिटलराचो प्रसिद्ध माहिती मंत्री गोबॅल्स हाणें म्हणिल्लें, ‘फट शंबर खेपे सांगल्यार तेंच सत्य जाता.’ चड करून ताका तेन्ना खबर नासतलें की तुमच्यांनी कांय लोकांक थोड्या काळा खातीर फटोवं येता जायत, पूण सगल्या लोकांक सगलो वेळ फटोवं नजं.

वेंचणुकेचे मोहिमेंतल्यो घडणुको लोकांची उमळशीक वाडयतात. आमचे बरेचशे राजकारणी आपल्या कार्या भितर आमच्या अर्थकारणाचे स्थितीचो विशय सोडून हेर सगल्या विशयांचेर चर्चा

घडोवपाचो यत्न करतात. वस्तुस्थिती आसा ते प्रमाण वेंचणुकांचो आंस आतां भौशीक वेव्हाराच्या वेवस्थापनाच्याच विशया भोंवतणीं गरजेन घुंवना, जाल्यार जायते खेपे तो भौसाच्याच प्रस्नां भोंवतणीं भोंवताडे काडटा. कांय जाणांनी वेंचणुको अमेरिकेच्या राष्ट्राध्यक्षाचे पद्‌दतीन जावच्यो अशें मत उकतायिल्लें आसलें तरी तांकां आमचे संविधानीक लोकशायेची पद्‌दत, शैली आनी आदेश हांचें गिन्यान ना अशेंच दिसता. कार्य करपाचें राजकारण हें सत्तेच्या राजकारणा पसून साप वेगळें हें आमच्या सगल्या राजकारण्यांक समजूंक जाय. म्हणून, खंयच्याय राजकी फुडाऱ्याक आपणाक जर इतिहासांत उरचें अशें दिसता जाल्यार ताणें सत्तेंत उरून इतिहासांत नोंद जावचे परस सत्तेर उरून कार्य करप गरजेचें.

भारतीय वेंचणुकांच्या निकालान कांय खेपे राजकारणाचीं जायतीं उमळशीक वाडोवपी तत्वां मुखार हाडल्यांत. हे विशींचो एक नेम जो काळा वांगडा प्रबळ जायत गेला तो असो – जें दार मातशें उकतें दवरूं येता तें केन्नाच धांपचें न्हय. विचित्र राजकी स्थितींतल्यान निर्माण जावन घट आकार घेतिल्ल्या ह्या तत्वांनी कडकडीं, दुबळीं आनी असमान अशीं खिचडी सरकारां मुखार हाडल्यांत. तेच भशेन कोल्लीच न्हय जाल्यार वेगळ्यावेगळ्या आनी विरोधी विचारसरण्यांच्या लोकांक लागीं हाडल्यात.

आमकां नश्ट्या आनी पाड्या राजकारणाचे पिडेचेर उपचार करूंक जाय. अशें करतले जाल्यार लोकांक झगझग दाखोवन आनी फटकिऱ्या आश्वासनांचो शिंवर करून पाड्या कर्तुबांक वाट दाखोवपी

असल्या राजकारण्यांनी राजकारणांत विश्वासाचें म्हत्व घालोवपाचो चुकीचो यत्न चलयला हें आमी तांकां उकतेपणान सांगपाची गरज आसा. म्हणून आमी अशे तरेची सध्याची गरगरीत वाडपी राजकी संस्कृताय बदलून लोकशाय चड परिपक्व आनी तटस्थ करूंक जाय.

आमचे मदीं व्हड राजकी फुडारी आनी विचारवंत आशिल्ले जांचे लागीं भरपूर धिटाय आनी दृढनिश्चय आशिल्लो. तशेंच ते आमचे संविधानीक लोकशायेच्या तत्वांक, सिद्धांतांक आनी आदर्शांक दसून आसताले. ह्या धाडशी आनी निश्चयी मनशांनी आमच्या राजकी विचारांक घटसाण दिल्या आनी आस्त वाडयल्या. कांय जाणांनी प्रशासकी उत्कृश्ठताय हाडून राष्ट्राचें सपन आनी दूरदृश्टी इतिहासाच्या विवीध पांवड्यांचेर पसरिल्ल्या काळाच्या टप्प्याटप्प्यांचेर सत्यतायेंत हाडपाक हातभार लायला. तांणी दिल्ले संदेश अजरंवर आसात, ते आमी आमच्या राजकी विचारांत खोल जिरोवंक जाय.

आमच्या देशाक जी दुसरी एक समस्या दीर्घ काळ सतायता आनी जी लक्ष ओडून घेता ती काळ्या पयशांची आनी काळ्या बाजाराची. आमच्या राष्ट्रांत आशिल्लो काळो पयसो हो आमच्या देशाचे अर्थवेवस्थेच्या पोटांतलो अल्सर अशें वर्णन आमच्यांनी करूं येता. म्हणून आमच्या धोरण आंखप्यांनी गरजेचीं पावलां उबारून काळो पयसो सांठोवप्यां, घोळोवप्यां आड तशेंच काळ्या बाजारा आडूय चाबूक उबारूंक जाय.

आमच्या राजकी मळार विसंगती उण्यो नात. कांय राजकी

पक्षांच्या जाहीरनाम्यांनी वस्तुस्थिती पसून पयस अशे बिगर म्हत्वाचे विशय उसतुपाचे हेत आसतात. जाल्यार हेर कांय जाण कितल्याश्याच कोट्यांची जायरात मोहीम आंखून आपलें घोडें मुखार व्हरूंक सोदतात. आयच्या काळांत हें दिश्टी पडटा आसलें तरी आमकां आमच्या राष्ट्रहिता खातीर संयोगी आनी सर्वसमावेशक सुधारणा कार्यावळपत्रिकेची गरज आसा. आमकां क्षमताये विशींचें राजकारण आनी सकारात्मक कार्यावळपत्रिका हांचे वरवीं कार्यकृती करपाची गरज आसा.

भक्कम सुधारणा कार्यावळपत्रिका नासल्यारूय विशिश्ट दूरदृश्टी आसल्यार गिमांतलो पुश्पपराग वेंचणुके वेळार झडोवपांत येस मेळूं येता अशेंय आमी पळयलां आनी आमकां जाणवलां. पूण देशाचे वाडीच्या इतिहासांत सकारात्मक परिणाम अशे पद्दतीन मेळनात. वेंचणूक काळांतलें चित्र नितीमत्तेक अग्रक्रम दिता, त्याच वेळार कायद्याची वैधताय जी फाटीं पडपाचे अवस्थेचेर आसा ती जाग्यार घालपाक जाय.

वेंचणुको ह्यो लोकशायेच्या दर टप्प्याचेर योग्य ते पद्दतीन घडोवन हाडप सामकें गरजेचें. वेंचणुकां विरयत लोकशाय आसपाक शकना. वेंचणुकांच्या मळार जायते कायदे आसात आनी त्या मळाचेर आमच्या स्वातंत्र्या सावन खूब सुदारणा जाल्यात. अशें आसुनूय आमी ह्या क्षेत्रांत आनीक सुदारणा आसपावन आमचे लोकशायेची आनीक बरे तरेन सेवा करूं येता. वेंचणुकांच्या संदर्भांत सुदारणा कायद्यांत आनी प्रक्रियेंत हाडपाक वा घडोवचे पयलीं नागरिकां मदीं

जर चर्चा आनी भासाभास घडोवन हाडली जाल्यार हे दिशेंत आनीक योग्य ती गती मेळटली हातूंत दुबाव ना. वेंचणुकांनी पयशांचो प्रभाव हीय एक हुसक्याची गजाल आनी ती योग्य पद्‌दतीन आनी धिटायेन हाताळपाक जाय.

●●●



# 4. आव्हानां आनी फुडारपण

वसाड जुंव्यार उरून कल्पनांचो उणाव आसप ही लोकशायेक मुखार सरपांतली व्हडली आडखळ. ह्या देशाक वाडीच्या मार्गार व्हरपाचें कार्य आपूण करतां तें दीसपट्टे जिणेंतले भुमिकेंत दर एका जापसालदार नागरिकान हातांत घेवंक जाय. एके विकसनशील अर्थवेवस्थेंत म्हत्वाचीं आनी नवीं क्षेत्रां मदीं मदीं उपरासतात आनी ह्या नव्या तासांक अधिकृत लक्ष्याची गरज आसता. सदांकाळ पारंपारीक आनी कर्मठ पद्दतिंकूच दसून रावल्यार मोखी सादपा सारकिलो परिणाम मेळचो ना. ह्या देशांत अजून गरिबी भरून रकता ताचीं कारणां जायतीं आसात. आमच्या समाजाच्या सगल्या विभागां मदीं समान वाडीची प्रक्रिया पसरावपांतलें अपेस हेंय हेर कारणां मदलें एक.

ह्या दुश्टचक्रांत, गरिबी नश्ट करपाक एकूच कल्पना पुरोशी ना अशें जाणवता. अग्रक्रमांतल्या गोंदळाच्यान म्हत्वाच्या विशयांक फाटीं उडोवं येता. प्रशासकी आळसायेन कालमर्यादेंत करपाच्या कामां कडेन दुर्लक्ष केल्ल्यान निरशेवणी हाडपी परिणाम जातात.

उपरांतच्या घडणुकांचेर परिणाम करपी अश्या म्हत्वाच्या विशयांचेर विचार करपी एक धाडशी, विचारी आनी तटस्थ फुडारपणाची आमकां गरज आसा आनी उदभवता. सत्तेर आशिल्ल्यांनी पोकें आनी तोंडाळ संभाशण करीत जाल्यार कसलेंच भक्कम अशें निरसन जायनासतना सुकी बडबड मात जातली. दुर्दैवान अशे तरेन वयर सरपी घातकी कल भारताचे आकांताळे नोकरशायी बांदावळीची धव्या हतया कडेन तुळा करीत जाल्यार तो तर्क लटीक थारचो ना अशें मत कांय विचारवंत मांडटात.

म्हणून फुडारपण अशें जाय जें भविश्याचेर नदर दवरून, सर्वसमावेशक वाड आसपावीत करपाक पूर्ण तांक ओंपतलें. त्या फुडारपणाक राजकी वर्ग, नोकरशाय आनी हितसंबंदी मनशां मदलो पाडो दुवो मोडून घालपाची धिटाय आसची पडटली. आमकां अशें फुडारपण जाय जें प्रशासनाच्या दर एका टप्प्याचेर आनी पांवड्याचेर पारदर्शकताय आनी जापसालदारकी हांची समजिकाय मनशाचेर बिंबयतलें. देखून आमकां शस्त्रक्रिया करपी शल्यतज्ञ नेतृत्व जाय; फकत मुळावो उपचार करपी तात्पुरतें फुडारपण नाका.

सर्वसादारण भारतीय मतदाराक तिडक येना अशें न्हय. पूण परंपरे सावन भारतीय नागरीक सहिश्णुतायेन वाडला म्हणून भारतीय मतदाराची सोंशीकसाण ही वायट प्रशासन दिल्यार चलता हे गजालीचो कौल न्हय. म्हणून नागरीक केंद्रीत प्रशासकी यंत्रणा सुधारची ह्या उद्देशान मारिल्लो उलो पक्व आनी योग्य असो आसा. आमचे प्रशासनीक यंत्रणेची सुस्ती काडून उडोवची पडटली. कांय काळीं कुपां जीं मांडल्यांत तीं खर संदेश दितात आनी आमी नागरिकांनी तो संदेश समजुचो पडटलो, तेन्नाच प्रशासनाची योग्य दिशेन वाटचाल जावंक पावतली.

भ्रश्टाचाराच्या पांवड्यार योग्य तरेन वखद करपाची गरज आसा. नाजाल्यार नागरिकांचो विश्वास राजकारण्यां वयल्यान पूर्णपणान वचपाचे गजालीक गती मेळटली. प्रसासकी आनी सरकारी पांवड्यार भ्रश्टाचाराची नडणी हुमटून काडपाचे योग्य यत्न जावपाक जाय. नाजाल्यार आमचे नागरीक त्रस्त जातले. तांणी आपलो आवाज फावो त्या लोकशायी मार्गांतल्यान काडून सरकाराक हो विशय अग्रक्रमान आनी प्रामाणीकपणान हातांत घेवपाक सांगचो पडटलो.

घडये, कांय जाण म्हणटात तशें, जितले आमचे राजकारणी बेजापसालदार जातात तितल्याच आक्रमक प्रमाणांत नागरिकांचे भुमिकेंत वाड जाता. कांय राजकारण्यांनी नागरी समाजाक बोटां दाखयत वापरिल्ले असभ्य आनी उद्धट भाशेक लागून लोकां भितर असल्या राजकारण्यां विशींचो अविश्वास धीट जाला अशें कांय जाण म्हणटात. पोक्यो गजाली बडायेन लिपोवपाचो यत्न, ही गजाल नागरिकांक पटना. संदेश व्हरपी दुताकूच मारपाचो हो यत्न अशेंय नागरिकांक दिसूंक लागता. भ्रश्टाचार आनी फटींगपणां आड झुजपी कृतीशील फुडारी कुप्रशासन, चुकीचीं प्राधान्यां आनी धोरणांक जाल्ली आर हांच्या गोबरांतल्यान आनी अवशेशांतल्यान वयर सरल्यात हें समजप म्हत्वाचें.

जायत्या सरकारांचेर संसदेंत चाबकां पडल्यांत, सर्वोच्च न्यायालयान तांचीं सालटां काडल्यांत, पत्रकारांनी खरमरीत टिका केल्या, आनी सर्वसाधारण लोकांनी तांकां कावलाक काडल्यात हाचे आमी गवाय आसप हें आमचे लोकशायेचें दुर्दैव. तरीय आसतना यंत्रणेचेर जावंक जाय आशिल्लो तसो परिणाम जावंक ना अशें दिसता. आमचे पद्दतींत आनी बांदावळींत अश्या सुशासना आड आशिल्ल्या उद्धट नेत्यांक सत्ते भायरे करप गरजेचें.

संवसारांत दुश्काळाचें कारण अन्नाच्या उत्पादनाचो उणाव आसलो तरी भारतांत दुश्काळ पडपाचें आनी उपासमार घडपाचें हेंच एक कारण अशें न्हय. भारतांतलीं दुश्काळाचीं आनी भुकेचीं कारणां वरवगोट्याचे सुरक्षीत सांठवणे खातीरच्या सोंपेपणांचो उणाव, तो वेवस्थीत वांटपाचे खात्रेचो अभाव आनी म्हणून अन्नाक सारकी बरी पोंच मेळपाचें अपेस अशीं आसात. कांय विचारवंतांक अशें दिसता, आनी तांणीय आपले अशे पद्दतीचें योग्य मत दिलां. तांच्या मतान अशें दिसपाचीं कारणां प्रशासनाक खबर आसात, पूण तीं जाग्यार घालपाक तांकां पूर्ण येस आयलें ना. चूक सुधारपांतल्या अपेसाक लागून कांय सरकारांक घडये पुरवण, अर्थसंकल्पाची आंखणी आनी फावो तो निधी हीं उद्दिश्टां पूर्ण करप हें आव्हान पेलूंक ना. बेहिसबी विदेशी खात्यांत राष्ट्रांच्या धनाचे व्हड सांठे आशिल्ले गिरेस्त लोक लाखांनी कोटी रुपयांचो कर चुकयतात तो मेळोवं नजं हीय गजाल लोकशायेक सामकी दुर्दैवी. एके वटेन उपासमारीची पिडा आमच्या जायत्या लोकांक सतायता आनी दुसरे वटेन कितलेशेच भारतीय कर चुकोवपा खातीर आपले कोट्यांनी पयशे विदेशांत साठवण करतात, ही एक गंभीर आनी दुख्खद परिस्थिती.

संसदेंत एकमत जावप ही हमी आसपाक जाय. धोरणांतलें कोंड आनी कृतीक जाल्ली आर ह्यो गजाली शिमीत कल्पनेक लागून निर्माण जाल्यात आनी तांचे भितर अब्जभर लोकांचीं सपनां आडवीं घालपाची क्षमताय आसा. अशे आरीचे आनी निश्क्रीयतायेचे परिस्थितींत आमकां परिणाम म्हणून अश्या सत्ते वयल्या खंयच्याय पक्षाची देंवती दिसूं येता. हे अशे कोंड वृत्तीक आनी आरीक लागून देशाचे उदरगतीची देंवती जावं येता.

हे वस्तुस्थितीचे आनी परिस्थितीचे फाटभुंयेर सर्वसाधारण

भारतीय राजकारण्याची नामना आनी मान हांचे निसरणेच्या आनी घसरणेच्या कारणांचेर विचार जावंक जाय. सट्ट करून दिसतात तीं कारणां म्हणल्यार भ्रश्टाचार आनी सत्तेचो दुरुपेग अशीं आसलीं तरी ती पूर्ण जाप अशी धरूंक फावो ना. आमचे नागरीक जेन्ना भौशीक साधनसामुग्रेची आनी दुडवांची लूट आनी चोरी चल्ल्या तें पळयतात तेन्ना ते खंती जातात. तांकां देशाच्या विकासाची गती मंद करपी आनी अर्थीक वाडीची मोट्या प्रमाणार घसरण करपी यंत्रणेंतले हे फोंडारे हें खबर आसा.

भ्रश्टाचाराच्यो घडणुको उकताडार येतात तेन्ना भारतीय जनतेची भ्रश्टाचारा विशींची तिडक आनी खंत उकतेपणीं दिसता. प्रशासनांत भ्रश्टाचार कांय प्रमाणांत मातला आनी तो कांय प्रमाणांत प्रशासनाच्या दरेका क्षेत्रांत रिगला अशें म्हणप सामकें लटीक जावचें ना. हाका लागून भ्रश्टाचाराचो कांक्र प्रशासनाक आंवुळटा. आमी अशी भांडवलशाय पळयल्या जिका लागून विशिश्ट मनशांनी आपले बुद्दीन आनी कळाशेन धंद्यांत वा वेवसायांत आकांताळें धन एकठांय करूंक ना, जाल्यार तें आपले संबंद, आडनदरेची वृत्ती आनी फटींगपणां हांकां लागून केलां.

आज मेरेन भ्रश्टाचाराची पिडा सहजसोंपी जाल्या ताचें आनीक एक कारण म्हणल्यार यंत्रणेंतल्या फावोश्या आळाबंदांचो उणाव. असल्या भ्रश्ट कृतींक लागून देशांत काळ्या पयशांची निर्मणी आनी सांठो जायत आसा आनी जायत्या जाणांनी तो विदेशांत दवरला, अश्यो खबरो कानार पडटात. भ्रश्टाचाराक लागून सर्वसाधारणपणान दोन तरांचे परिणाम दिसतात. भ्रश्टाचार म्हालाचें आनी सेवांचें मोल थारायता कारण वस्तूच्या उत्पादनांत जाल्ल्या भ्रश्टाचाराचेर तें निंबून उरता. भ्रश्टाचार वस्तूंचेंय मोल थारायता. भ्रश्टाचार

कल्पक उद्योजकांक आनीक मार्गांचे निर्मणेक हातभार लावन तांकां भ्रश्टाचाराचे वयले पांवडे थारावपांत आधार दिता, जाका लागून प्रामाणीक आनी सच्चे उद्योजक भड्डतात.

ह्या म्हत्वाच्या वेळार नागरिकांनी हस्तक्षेप केलो ना जाल्यार हे हुसके वाडून आमचे राज्यवेवस्थेक कायम आनी भरून काडूंक येना अशें लुकसाण जावपाचे भिरांतेक पाळो दिवपाची तांक आसा. म्हणून संविधानान दिल्ल्या साधनांच्या आनी उपायांच्या आधारान योग्य कृती आपणावपाचीं बिंयां रोवपाचो वेळ आयला. हातूंतल्यानूच आमच्या संविधानांत सुचयिल्ले आदर्श प्रत्यक्षांत येवं येतात. तुमी आड्डुले बगर तुमचें कोण आयकना, अशें भौसाक जें जाणवूंक लागलां ती लोकशायेंत आदर्श अशी गजाल न्हय. लोकशायेंत सगल्या घटकांचें मत जाणून घेवपाची प्रक्रिया आंखपाक जाय. हेच भावनेंतल्यान आमचे लोकशाये विशींचे जापसालदारकेचें कार्य दरेका नागरिकान आपणावपाक जाय.

राजकारणांतले कांय जाण वांकडे वाटेन वचपाचे कलेंत आनी कुशळटायेंत निपूण जाल्यात अशें कांय जाणांचें मत आसा. कांय राजकारण्यांनी माहितीच्या शेतांत नडणी रोवपाची कला आपणावन ते तातूंत फिशाल जाल्यात. ही नडणी प्रसारमाध्यमांतल्यान चुकीची भर घालता आनी म्हणून असल्या राजकारण्यांच्या तिरप्या डावाक दुर्दैवान भरपूर पोसवण मेळटा. सध्याच्या राजकारणान जायतीं तासां आपणायल्यांत, जांतलीं कांय लोकांआवडीचींय आसात. राजकी वर्गाचे एके नवे पिळगेन हुशार सहाय्यकांक आपणायल्यात, जे मतदारांच्यो समस्या हाताळून तांकां वेगीं मेळटा असो आधार दितात. हो एक नवो कल आमकां हालींच्या काळार दिसपाक लागला आनी आमी तो अणभवपाक लागल्यात. पयलींच्या काळांत निवडून दिल्ले

प्रतिनिधी आपल्या हाता सकयल आपलीं कार्यालयां चलयताले. पूण हालींच्या काळांत जावं तंत्रगिन्यानाच्या पालवान जावं नव्या काळाच्या नाड्यार, सज्ज अशीं निवडून आयिल्ल्यांचीं कार्यालयां आनीक सुटसुटीत पद्दतीन काम करतात तींय आमी पळयतात.

दुर्दैवान भौसा मदीं एक नवी कल्पना निर्माण जाल्या, जातूंतल्यान मतदारांक दिसता, आमच्या राजकी पक्षांची दोळ्यां फुडली मोख म्हणल्यार कशेय भशेन आनी खंयच्याय माध्यमांतल्यान सत्ता हातासप आनी हें असलें साध्य भौशीक कल्याणाचेर मात करपाची क्षमता पोसता. सत्ता ही सेवा करपाक जाय, मिरोवपाक न्हय हें आमच्या सगळ्या राजकारण्यांनी समजुपाक जाय. मतदान ह्या पवित्र माध्यमाच्या आधारान आमची लोकशाय फळटा हें आमच्या राजकारण्यांनी तशेंच आमच्या नागरिकांनी लक्षांत दवरपाक जाय.

राजकारणांत लोकविस्वासाचो पांवडो इतलो सकयल कित्याक गेला आनी मतदार आनी लोकप्रतिनिधी हांचे मदल्या विस्वासाची घळ कित्याक वाडत वता तें तपासपाचो हो सुयोग्य असो वेळ हें निश्चीत. कांय जाणांच्या मतान, देशांत जापसालदार, संवेदनशील आनी निर्णायक फुडारपणाची गरज आसा. हेर कांय जाण म्हणटात, राजकारण्यांच्या कर्मांक लागून मतदारांच्या इत्साआकांक्षांक ते केन्ना केन्ना मातूय लागीं येनात. कारण थोड्यांनी उधळपट्टेची आनी दुडू फसफसावपी अशी जीण आपणायल्या. आमी नागरिकांनी सरंजामशायेचे मानसीकतायेंतल्यान भायर सरून सत्तेर आसात ते प्रशासन चलोवन लोकसेवा करपाक आसात, सत्तेचो गैरवापर करपाक न्हय, ह्या तत्वाचेर भर दिवंक जाय. आमचे राज्यवेवस्थेक तें व्हडपण आनी वैभव परतून दिवप हो उबो दोंगर चडपा इतलो कश्टांचो वावर. तरीय आमी तो हातांत घेवन करचोच पडटलो. ●●●



# 5. सुधारणांची गरज

स्वातंत्र्या पसून आमी जायती प्रगती आनी विकास गांठला. तरेकवार मळांचेर आमी देश फुडें व्हरपाचीं पावलां मारल्यांत. आमच्या राष्ट्रान सबळीकरणाची हमी दिवपा खातिरूय पावलां मारल्यांत. तरीय आसतना आमी आनीक प्रगती आनी विकास घडोवन हाडपाची गरज आसा. विकसीत राष्ट्र म्हणून वळख जोडपाक आमी पात्र आसात, पूण राष्ट्र बांदणेच्या मळार आमकां आनिकूय कार्य करचें पडटलें. परमशक्ती राष्ट्रांच्या वर्गांत वचपाक ज्यो आडखळी आमकां जाणवतात तांचो तोडगो काडून आमी योग्य दिशेन वाटचाल करपाची गरज आसा.

आमच्या देशाक जायत्या समस्यांनी ग्रासला. आमचे कडेन त्रास भोगपी जनतेक थाकाय दिवपाची तांक आसली तरी खंय तरी, कितें तरी चुकता आनी समस्या चालूच उरतात. आमचे कडेन भरपूर कायदे आनी नेम आसात. प्रस्न आसा तो ते योग्य तरेन चालीक लावपाचो. भारतांत आशिल्ल्या कांय वायट संवयांचेय

कल कुशीक काडपाची गरज आसा. नामनेचे वकील, सर्गेस्त नानी पालखीवाला हांणी एकदां म्हणिल्लें, भारतांतलो कल म्हणल्यार अती चड सरकार आनी अती उणें प्रशासन, अती चड कायदे आनी अती उणो न्याय, अती चड सरकारी कर्मचारी आनी अती उणी भौशीक सेवा, अती चड नियंत्रणां आनी अती उणें लोककल्याण. अती चड कायदे आनी अती उणो न्याय आशिल्लो देश ही वळख आसप आनी आपणावप आमकां परवडपाचें आनी सोबपाचें ना. समस्या हाताळपाक आमचे विचार स्पश्ट आसूंक जाय. समस्यांची वळख पट्टकूच त्यो निर्माण जावपाचीं नेमकीं कारणां समजून घेवंक जाय. प्रगतीशील विचारसरणी, दूरदृश्टी आनी प्रामाणीकपण दवरून कार्य करपाची गरज आसा. कारण समस्यांचो दोंगर हुपप खात्रेन अशक्य न्हय.

ह्या म्हान देशांत बऱ्या कल्पनांचो उणाव मात्तूय ना. ह्यो कल्पना एकठांय करून प्रामाणीकपणान चालीक लायत जाल्यार भारताच्या नागरिकांक चड बरी सेवा मेळटली. आमची प्रशासकी बांदावळ जायत्या थरांचेर उबी आसा, आनी खात्यांचे खातडीक लागून जापसालदारकी नेमकी थारावंक जायते खेपे कठीण जाता. खरें म्हणल्यार, आमी निश्कर्श काडूंक वचत जाल्यार आमच्या प्रशासनाची व्यथा म्हणल्यार फकत उणाव, आडावण्यो आनी गळट्यो अश्योच त्यो थारतल्यो. आदले प्रधानमंत्री, राजीव गांधी हांणी एकदां म्हणिल्लें, ‘भारतांत दर रुपयांतले फकत पंदराच पयशे गरिबां आनी गरजेवंतां मेरेन पावतात.’ ह्या वाक्यान आमचे लोकशायेचे दोळे उकते जावंक जाय कारण तें विश्लेशण वास्तवाचे

फाटभुंयेर आधारिल्लें आसा.

निर्णय घेवपाचे कितलेशेच थर आनी ते निर्णय जायत्या पांवड्यां वरवीं चालीक लावपाची कल्पना ह्या देशाचे वाडीची गती आंखुडटा अशें कांय विचारवंत म्हणटात. उर्जा आसूं वा ग्रामीण साधनसामुग्री वा शारी सुधारणा, बंदरां जावं वा मार्ग, भारताचे कार्यक्षमतायेचे सुधारणेक आकांताचो वाव आसा. पूण आमी जायते खेपे व्यर्थ चर्चा करपांत गुल्ल जाल्ले आसतना, सर्वसाधारण मनशान आपल्या राष्ट्राचे वेवस्थापक म्हणून नेमिल्ल्या मनशांनीच ताका कश्टांची जीण भोगपाक भाग पाडला अशेंय कांय जाण म्हणटात. पूण एक, त्या वेवस्थापकान आपलें कर्तव्य वेवस्थीत पार पाडलें ना जाल्यार तो तोच सर्वसाधारण मनीस वेंचणुकेचे वेदीर मतपत्रिकेचे तरसादीन ताका लिसांव शिकोवपाक फाटींफुडें पळोवचो ना हाची गवाय इतिहास आसा.

आमचे नोकरशायेची बांदावळ आनी प्रशासकी यंत्रणेन आळसाय आनी भ्रश्टाचार सोंसपाक आनी पोसपाक जायना. अशे तरेच्यो कार्यरत हमी आमी दरेका पांवड्यार स्थापूंक जाय. आमचे प्रशासकी यंत्रणेंत आशिल्ल्या त्रुटींचो प्रामाणीक नियाळ घेत जाल्यार भ्रश्टाचाराक आशिल्ली संद होच आमचे यंत्रणेंतलो मुळावो दोश हाची प्रचिती येतली. भ्रश्टाचार देश पोखरता आनी आमचीं हाडां आनी रगताची यंत्रणा हांचेर परिणाम करता. भ्रश्टाचाराचो हो कांक्र कापून काडपाची जापसालदारकी नागरिकांचेर आसा, हातूंत मात्तूय दुबाव ना.

फकत केंद्रांत जनलोकपाल वा राज्यांनी लोकायुक्त हांची

स्थापना भ्रश्टाचाराच्या सगल्या आंगांचेर आनी तासांचेर उपचार करून नश्ट करतलो अशें चिंतप भोळेपणाचें थारतलें. पारदर्शकताय हाडपाक ह्या संस्थांच्या आवाठा भायर आमच्या प्रशासनान पावलां मारचीं पडटलीं. जांचे वरवीं आमी सगल्या सरकारी संस्थांचेर आनी तांच्या कार्य करपाचे पद्दतीचेर दोळो दवरून पारदर्शकताय हाडपाच्या हावेसाक पाळो दितले. एक बळिश्ट भ्रश्टाचार विरोधी यंत्रणा जरी आमी घटने अंतर्गत स्थापन केली तरीय प्रत्येक सरकारी पांवड्यार प्रत्येक खात्यांत आनी संस्थेंत भ्रश्टाचार आडावपाची खात्री आमच्या प्रशासनान आत्मसात करची पडटली. भ्रश्टाचार हो राष्ट्राचो मोटो हुसको आनी हाचेर उपचार करून जैत मेळपा खातीर पारदर्शक प्रशासकी यंत्रणांची गरज जशी आमकां उपरासता तेच भशेन प्रामाणीक मनशांच्या कर्तृत्वांनीच ती यंत्रणा योग्य तरेन चलूं येता.

भौशीक प्रशासनाच्या आवाठांत ज्या जायत्या तासांचेर विचार करपाची गरज आसा तांचे बाबतींत नागरिकांनी आपले विचार योग्य तरेन मांडल्यार आमचे लोकशायेक भोव आधार जातलो.

सरकारां कडल्यान फावोसो तेंको मेळूंक जाय अशें एक म्हत्वाचें क्षेत्र म्हणल्यार शिक्षण. आमच्या देशांत खाजगी संस्था शिक्षणाचे वाडीक आनी प्रसाराक सतत बरे तरेन हातभार लायत आसात ही एक बरी गजाल आनी ती सगल्यांक दिसता. शिक्षणाच्या क्षेत्रांत खाजगी संस्थांचे व्हड भुमिकेचें एक कारण म्हणल्यार व्हडा प्रमाणान सतत वाडत वतले मागणेची पुरवण सरकाराच्यान एकल्याच्यान करूंक जमना. तरीय आसतना, अदीक बरीं शिक्षणीक सोंपेपणां

मेळोवन दिवपाचे दिशेन सरकाराच्यान आनीक व्हड भुमिका करूं येता. शिक्षणाच्या मळार सकारात्मक बदल करपाचे नदरेन, आदर्शवाद हो पूर्ण बदल हाडपांतलो प्रेरक आसलो तरीय, हे प्रक्रियेंत विद्यार्थ्यांचे बौद्धीक आनी भावनीक समजणे हें समजप अत्यंत गरजेचें. देखून शिक्षणीक मळारूय मुळाव्यो सुधारणा जावंक जाय. ह्यो सुधारणा जावंक जाय अशें आमकां दिसलें तरीय त्यो घडून येत असो यत्न आमी करूंक जाय. पूण दुर्दैवान त्यो सुधारणा नोकरशायेचे सुस्त आळसायेंत, आनी मंद धोरणांनी केन्ना केन्ना मुंगरून रावतात. विद्यापिठांक आनी शिक्षण केंद्रांक सगल्यांत चड म्हत्व आमी दिवचेंच पडटलें. शाळा, म्हाविद्यालयां आनी विद्यापिठां ह्यो फुडाराक आकार दिवपाची तांक आशिल्ल्यो संस्था हें आमकां उमजूंक जाय. आमची शिक्षण पद्दत आमच्या समाजाचे गरजेक आनी गाब्याक मान दिता हाची खात्री आमी करूंक जाय.

आमची शिक्षण पद्दत विद्यार्थ्यांच्यो गरजो भागोवपाचे नदरेन जतनायेन आंखूंक जाय; पाठ्यपुस्तकां लेगीत रचयता आसतना विद्यार्थ्यांचो सर्वसमावेशक विकास नदरेंत दवरून आवश्यक मुद्दे तातूंत आसपावीत करपाक जाय. हे शिक्षणीक प्रशिक्षणाचे आनी शिकपाचे प्रक्रियेन आमच्या तरणाट्यांक रोजगाराच्या संदिंकूय प्रशिक्षीत करपाची हमी दिवंक जाय. देखून आमकां वेवसाय मार्गदर्शक केंद्रांच्या वरवीं लोकांक रोजगार मेळोवपाक मदत करता अशें एक धोरण जाय. रोजगार दिवप ही आपली जापसालदारकी ही गजाल विसरनासतना सरकारान ते दिशेन योग्य पावलां मारूंक जाय.

शिक्षण मळा वयल्या सुधारणांचेर चर्चा जावन त्यो एकमताचे

साणीर घांसून एके पद्दतशीर आनी मसलतीचे धाटणे वरवीं आपणायत जाल्यार सुगुरव्याच्यो थारतल्यो. अशे सुधारणा प्रक्रियेची बुन्याद विचार विनिमया खातीर तज्ञां कडल्यान पेपर मागोवन तांचेर चर्चा केले उपरांत ते शिक्षण क्षेत्र, उद्देग आनी उत्पादन क्षेत्र हांतल्या लोकां मुखार मांडू येतात.

गरिबी नश्ट करूंक जाय जाल्यार शिक्षण आनी रोजगार निर्मणी हांचेर भर दिवचीच पडटली हें विसरूंक फावो ना. जायत्या सरकारांनी सत्तेर आसतना जायत्यो ओडलायण्यो आनी भूल घालपी, गरिबी उणावपी येवजण्यो सुरू केल्यात, ज्यो कागदाचेर पळयल्यार आकांताचो हावेस निर्माण करतात, पूण प्रत्यक्षांत तांणी चड फरक करूंक ना.

आमकां गरिबी उणावपाक, बेरोजगारी निवळावपाक फाटसारिल्ल्यांचे अधिकार सांबाळपाक आनी बेघर जाल्ल्यांक पुनर्स्थापीत करपाक सर्वांगी कार्यावळी गरजेच्यो. विकासाक लागून आपल्यो जमनी आनी चरितार्थाचीं साधनां नाशीं जाल्ल्याचो धग लागिल्ल्यांक आमच्यांनी वाऱ्यार उडोवं नजं. हें सत्य सगले जाणटात आनी मानून घेतात आसले तरीय वस्तुस्थिती पळोवन योग्य पावलां ते दिशेन घेवपाची गरज भासता. सगल्यांत दुर्दैवी घडणूक म्हणल्यार ज्यो तथाकथीत सगल्यांत म्हत्वाच्यो येवजण्यो धोल बडोवन सुरू केल्यात त्यो सगल्यो लेगीत अपेक्षीत चकचकान मुखार सरल्यो नात आनी कांय येवजण्यांनी समाजाचेर थोडो वा कसलोच परिणाम जालो ना. हांगाय बी समस्या आयल्यो तांचे फाटलीं कारणां दुबळी प्रशासकी परिणामकारकताय, जापसालदारकी आनी पारदर्शकताय

हांची खात्री दिवपी अंतर्गत पावलांचो उणाव.

ह्यो मोखी साधपा खातीर, आनीक कळाव करिनासतना आमच्या प्रशासकी प्रक्रियांचो आनी कार्यकृती यंत्रणांचो नियाळ करप गरजेचें. उंचेली कार्यक्षमताय उखलून धरपाक आनी जापसालदारकी आनी पारदर्शकताय हाडपाक आमी डावपेंच पूर्णपणान आनी सगल्या आंगांनी आंखचे पडटले. खोल रिगिल्ले समस्येक किरकोळ डावपेंचांचो कांयच उपेग जावचो ना. तिचेर खर उपाय करचोच पडटलो.

प्रशासनाचें चड लक्ष फावता अशें आनीक एक आंग म्हणल्यार साधनसामुग्री. आमकां फुडाराचेर नदर दवरून निर्माण केल्ली बरी साधनसामुग्री जाय. आमी फकत दर्जेदार गांवगिरीच न्हय जाल्यार उत्कृश्ठ शारी साधनसामुग्रेची खात्री करूंक जाय. आमचीं शारां आकारान वाडटात तसो उदकालोट वाठाराचेर ताण येतलोच. शारांचे आंखणे विरयतचे वाडी आड आमी येवजण आंखूंक जाय. शारांची आनी नगरांची वाडटी मागणी पूर्ण करपाच्या हावेसान येवजणेची कल्पना तिच्या पवित्र तासांक आनी प्रमाणांक कोनशाक मारल्यार शारां आनी नगरां अवेवस्थीत आनी गोंदळाचीं जातलीं. शारांनी निर्गमन जावपाचें सगल्यांत म्हत्वाचें कारण म्हणल्यार रोजगार. व्हड शारां रोजगाराच्यो चड संदी आनी साधनां दितात हातूंत दुबाव ना. पूण प्रत्यक्ष रोजगारा परस, बऱ्या रोजगाराची अपेक्षा आनी आस्त नव्या नव्या लोकांक सतत शारांनी ओडून हाडटा. कांय व्हड शारी एकठावण्यांच्या वर्चस्वान निर्माण केल्ली ही लोकसंख्येची प्रदेशीक असमानताय अस्ताव्यस्त आनी उत्स्फूर्त विस्ताराक आनी

विकासाक अशे तरेन हातभार लायता.

दर शार वा नगर आपले साधनसामुग्रेक लागून आपले कार्यकृती तांकीचेर निंबून अमक्याच एका आंकड्या मेरेनच्या लोकांक सोंसपाचो कमाल पांवडो सांबाळटा. हे कार्यकृती तांकीचेर ताण येतकूच वाडटी लोकसंख्या सोंसणिकायेच्या शारी शिमां भायर पसरून आमचीं म्हानगरां आनी व्हड शारां लोकसंख्येचो एक पातळायिल्ले दाटायेचो प्रकार जावन दाखयतात. ही आंखणे विरयतची वाड जमनीच्या वापराचे आंखणे बगरच्या आनी चुकीच्या धोरणाक लागून थीर जाता. सुपीक शेतजमनींचें रुपांतरण करप वा ताका मान्यताय दिवप ही चुकीची येवजण. हे गजालीक खंयचेच पद्दतीन प्रोत्साहन दिवपाक जायना. प्रत्यक्ष स्थिती पळयत जाल्यार शारी विस्ताराच्या रुपड्या खाला हो कल वाडटो आसा. वस्तुस्थिती दिसता ते प्रमाणें हो विस्तार जायते खेपे रुपांतरीत जमीन रियल इस्टेट एकाधिकाराच्या चपक्यांत वता. जाका लागून रियल इस्टेटीचें मोल रुपांतरीत केल्ले आलायते जमनी वरवीं बांदकाम वेवसायीक फायदो करून घेतात. अशें करता आसतना धड गरजेवंताकूय घराची हमी मेळना आनी घर मालकीच्यो दरोय उण्यो जायनात. ह्या अर्थहीण आनी दूरदृश्टी नाशिल्ल्या येवजण्यांक लागून आमच्या शारां आनी नगरांचे भलायकेवंत वाडीक आनीक आडखळी आनी आडमेळीं निर्माण जातलींच जातलीं.

कायदो आनी सुवेवस्था हांच्या मळार, आमचें राज्य सुधारणेंत वयर सरूंक जाय. आमचें पुलीस दळ आपलो मान सांबाळपाक कश्ट काडटा. आमच्या जायत्या तपास यंत्रणांनी लोकांचो आपले वयलो

विस्वास साप सकयल्या पांवड्यार पावयला हीय एक हुसक्याची गजाल.

कायदो आनी सुवेवस्था सांबाळप हें पुलिसेन आपल्या योग्य अधिकाराच्या वापरांतल्यान आनी कार्यपद्दतींतल्यान करूंक जाय. कायदो सांबाळपी यंत्रणांचे विशेशाधिकार नागरिकांच्या हक्कां आड आसूं नजं वा जावं नजं. आमच्या सगल्या नागरिकांक सुरक्षेची आनी राखणेची हमी दिवप ही सरकाराची जापसालदारकी. आमच्या समाजानूय नितीमत्ता आनी मुल्यांक म्हत्व दिवप टाळपाक जायना. अशें जालें जाल्यार सुवेवस्थेची समाजांत भरभराट जावपाक पावतली. जो समाज बायलांक आनी भुरग्यांक मान दिवंक नकळं तो देंवते कळेचेर आसा अशें म्हणप लटीक जावचें ना. आमच्या भुरग्यांक बरें भुरगेपण दिवन तांचे शिक्षणीक आनी मानसीक उदरगतीक आमी खूब म्हत्व दिवपाक जाय. आमच्या बायलांचो आनी भुरग्यांचो फाजील फायदो घेवपा आडचे राखणेची हमी दिवपी कायदे आसात. तरीय आसतना तांचे आड जावपी गुन्यांव आडावपाक एका सुधारिल्ल्या आनी अदीक बऱ्या पुलीस दळाची गरज उकतायतात. कायदो आनी सुवेवस्था हीं आदर्श म्हणून आपचलीत यंत्रणा आसूंक फावो. लोक कायदो पाळटात तेन्ना सुवेवस्था आपसूक येता.

राज्यवेवस्थेच्या खुबश्या मळांचेर भ्रश्टाचाराच्यो घडणुको आमकां दिश्टी पडल्यात. भ्रश्टाचाराच्या कांक्रा पसून पूर्ण सुरक्षीत प्रशासकी निर्णय घेवपाचे यंत्रणेची गरज आसा. भ्रश्टाचाराचें हें नश्टचक्र ना करपाचो एकूच मार्ग म्हणल्यार नागरिकांनी निर्धारान आपूण जावन मुखार सरूंक जाय.

खोलायेंत वचून पळयत जाल्यार भारताच्यो गरिबीच्यो समस्या चडशे खेपे कृती आनी कार्यकृतींतलें अपेस ह्या गजालीं भोंवतणींच उरतात हें आमकां समजतलें. सरकारान विकासाच्या आनी सबळीकरणाच्या ह्याय मुळाव्या विशयांक फावो ते पद्दतीन हात घालूंक जाय. निधी मेळपा परस मुळांत परिणामकारक प्रशासनाच्या अपेसाक आनी इत्शेच्या उणावाक लागून सेवांची कार्यकृती जायना. हाका लागून परवडपी अश्यो भलायके सारकिल्यो गजाली जायत्या भारतीयांच्या हाता भायर आसतात. सगल्यांक भलायकेचीं सोंपेपणां मेळपाची खात्री करपा खातीर चड अदमासपत्रकी वांटो दिवपाची गरज आसली जाल्यारूय सध्याच्यो वेगळ्योवेगळ्यो वांटण्यो चड बरे आनी अदीक कार्यक्षम पद्दतीन चालीक लागूंक जाय. तेन्नाच परिणाम स्पश्ट दिसतले. आमचे भितर भलायकी सगल्यां मेरेन पावोवपाची तांक आसा. इतलें आसुनूय आमकां भलायकी सगल्यां मेरेन पावोवपाक कित्याक जमलें ना? हाचेर खोलायेन विचार जावन योग्य उपाय काडपाची गरज आसा.

सुशासनाच्या दुसऱ्या क्षेत्रां मदीं येरादारीची स्थिती आनी मार्गा वयली वागणूक हांचोय आसपाव जाता. आमच्या रस्त्यांची स्थिती आनी भौसाची तांचे वयली वागणूक ह्यो गजाली शार वा नगर जे तरेन चलता ताचें बिंब आसता. कायदे फावो तशे आनी योग्य प्रमाणांत चालीक लायनासप, रस्त्यांचेर काळोख आनी बेकायदेशीरपणान परवाने दिवप ह्यो गजाली समाजांत खोल रिगिल्ले पिडेच्यो दर्शक आसात. आमचे मार्ग वेवस्थीत दवरपांत आनी मार्गा वयली वागणूक सुरळीत पद्दतींत हाडपांत आमी येशस्वी जाले जाल्यार जायत्यो

गजाली निश्चीत करपांत आमी मुळावें पावल मारलें अशें जातलें. पूण दर एकलो 'सुधारणेच्या ह्या तासाक म्हत्व दिवपाक जाय' अशें मत उकतायता आसलो तरी ताचो हावेस फळादीक जायना. हो हावेस फळादीक जावपाक सरकारान पावलां मारपाक जाय. तेच भशेन नागरिकांनीय आपआपले परीन शिस्तीचीं योग्य तीं पावलां मारचीं पडटलीं.

●●●



# 6. आसपावीत वाड आनी भौशीक कल्याण

आमच्या असल्या लोकशायी देशांत, जायत्यो संस्कृतायो आनी परंपरा एकठांय आसून समृद्धीक पावता थंय आसपावीत वाड आनी भौशीक कल्याण हांचे संविधानीक आदर्श सगल्यांत म्हत्वाचे थारतात. राष्ट्र जेन्ना वाडीचे पांवडे गांठ्ठा आनी नागरीक जेन्ना समृद्ध जातात तेन्नाच राष्ट्राची वाड खऱ्यांनीच जाता अशें म्हणप चुकीचें जावचें ना. देखून, सत्ते वयल्या सरकारान हो आंवडो पूर्णपणान समजत जाल्यारूच काळजांतल्यान संविधानीक उद्दिश्ट गांठपाचे प्रक्रियेंत सरकाराच्यो कृती आनी कर्तुबां एक मध्यस्थ म्हणून काम करतल्यो.

सरकारान आपणाक बदलाचें साधन म्हणून मानपा खातीर तीन गजाली गरजेच्यो आसात. त्यो म्हणल्यार फुडारपण, दूरदृश्टी आनी कुशळटाय. निर्णायक फुडारपण वेवस्थीत रितीन मुखार येता तेन्नाच संवसारांतले खूब म्हत्वाचे बदल घडल्यात अशें इतिहास आमकां सांगता.

जशें बरें राजकारण देशाक समृद्धी वटेन व्हरता, तेच भशेन कण्णम राजकारणाच्यान चुकीचीं धोरणां मुखार हाडून, वा म्हणुया, योग्य तीं फाटीं दवरून देशाचे अर्थीक आनी समाजीक वाडीचेर प्रतिकूल परिणाम करूं येता हें समजप तितलेंच म्हत्वाचें.

वाड जावपा खातीर आसपावणेची कल्पना परिणामकारक रितीन मुखार व्हरप, तिका नांव दिवन सबळीकरण करप होच मंत्र जावंक जाय हें म्हत्वाचें. वाडीच्या दर एका क्षेत्रांत भलायकेवंत आनी सर्वांगी धोरणाच्या आगमनाच्यान तिगोवपाची खात्री दिवं येता. समृद्धी आनी भौशीक कल्याण ह्यो मोखी गांठपाक आमची अर्थवेवस्था भलायकेवंत आसूंक फावो.

कल्पनेंतली समाजीक नदरेन न्याय्य अर्थीक वाडीन धनाची निर्मणी आनी वांटणी हांची खात्री करून लोकजिणेचेर सकारात्मक परिणाम करूंक जाय. अर्थवेवस्थेची वाड जावपा खातीर शेतकी मळार पावलां मारप अत्यंत गरजेचें. शेतकारांक फकत किमान आधारी मोल न्हय तर किमान फायद्या मोलाची खात्री जातली अशे तरेन शेतकामांत गुंतवणूक आनी उत्तेजन दिवंक जाय. उद्देगाच्या मळारूय, उत्पादन आनी संशोधन ह्या विशयांनी पावलां मारूंक जाय. बिगर पारंपरीक उर्जेच्या नवीन स्त्रोतांक पोसवण दिवप आनी विकसीत करप हेंय ह्या बदलत्या काळांत अत्यंत गरजेचें.

आमकां जाय आशिल्ले अर्थीक वाडीचे गरजेचेर नागरिकांनी चर्चा सुरू करून फावोशें धोरण निर्माण करपा कडेन आमी पावलां मारपाक जाय. ह्या संदर्भांत डेनियल वॅबस्टराचीं मोलादीक उतरां याद जातात. तांणी म्हणिल्लें, 'लोकांनी देशाचे सुरक्षेचो पत्कर

घेत जाल्यार ताचो घात जावचो ना, आनी आपल्या सोडून दुसऱ्या कोणाच्याय हातांत ती सुरक्षा सोडीत जाल्यार कोणाच्यानूच ताका तारूंक जावचें ना.'

स्वातंत्र्या पसून, भारताचो पांवडो आनी प्रभाव संवसारांतल्या राष्ट्रां मदीं जायत्या पटींनी वाडला हातूंत मात्तूय दुबाव ना. फाटल्या कांय दशकां मदीं आमची अर्थवेवस्था भक्कम जाल्या आनी वाडीच्या आनी विकासाच्या विंगडविंगड वाठारांनी आमी जायते वाटचिरे गांठल्यात. अशें आसतनाय जायत्या आव्हानांक तोंड दिवन आनिकूय विकासाच्यो मोखी आमकां देशहितान साधपाच्यो आसात. हो काळ दुबावा विरयत आव्हानांचो आसलो तरी हाचे पयलीं केल्ले भशेन आमच्यांनी आव्हानांचें संदींनी परिवर्तन करूं येता.

विस्तृत नदरेन भौशीक प्रशासन दोन वर्गांनी विभागूं येता. रासवळ पांवड्यार, खाजगी उद्‌देगांक भेदभाव करिनासतना तेंको आनी उर्बा मेळत अश्या वातावरणाची खात्री दिवप. तेच भशेन व्यक्तीगत पांवड्यार, पक्षपाता बगर सगल्या नागरिकांक मुळाव्यो सेवा आनी सोंपेपणां हांची पुरवण करपा कडेन प्रशासनाचें लक्ष आसूंक फावो.

नोकरशायेचे पुनर्बांदावळी सयत अर्थवेवस्थेंतल्यो सुधारणा करून एक सर्वांगी आनी वांटेकार धोरण आपणायत जाल्यार परम शक्तीच्या मार्गार वचपाचे आमचे वाटेक निश्चीत गती मेळटली.

ह्यो मोखी सादूंक जाय आनी ह्यो मोखी सादपा खातीर आमी नागरीक फकत कर्तव्यदक्ष मतदारूच आसून जावचें ना, जाल्यार संविधानांत सांगिल्ल्यो आमच्यो म्हत्वाच्यो भुमिका आमी वठोवच्यो

पडटल्यो. नागरिकांनी जशीं आपलीं कर्तव्यां पाळूंक जाय, तशेंच राजकारण्यांनीय जायतीं कर्तव्यां पाळपाची गरज आसा. कायदो करतल्यांनी हे प्रक्रियेंत संवेदनशील जावन आसपावीत मेकळो विचार करून वास्तवीक आसूंक जाय. अशे तरेचो विचार राजकारणी लोकांक खरी आस्त आनी हावेस आपसूक दितलो. मेकळ्या विचारांचो आनी आदर्शांक दसून रावपी संवेदनशील मनीस वा राजकारणी जेन्ना कायदो करपी जाता तेन्ना भौशीक कल्याण मेळोवपा खातीरचें प्रामाणीकपण सगल्यांत वयली सुवात घेता. अशे तरेच्या कायदो करपी नागरिकांनीय सतत घेतिल्ल्या वांट्याक लागून यंत्रणेक आपसूक तेज, उर्बा आनी झगझग हाडटलो.

बदलतो काळ, आनी परिस्थिती हांचे प्रक्रियेंतल्यान राष्ट्र निर्माण जाता. बदल जाता म्हणल्यार कोंबाचें अचकीत रुखांत रुपांतरण जायना आनी हें अनंत काळा सावन चलत आयलां. लोकशायेंत वेंचणुकेंतल्या उमेदवारांक दर वेंचणूक एक वा चड संदेश दिता. जैतवंत जाल्ले आनी हार खाल्ले सोडून दीत जाल्यार मतदानाचे आंकडेय मतदारांचें मानस उकतें करतात. हे सगले संदेश म्हणल्यार म्हत्वाचे दर्शक जे ते बाबतींतल्या विशयांचे आनी धोरण आंखणेंतले अग्रक्रम थारावपाचे प्रक्रिये मेरेन व्हरतात आनी तिका आकारूय दितात.

एका किर्तीवंत आनी बळिश्ट देशाक मुखार व्हरपाची दृश्टी म्हणल्यार मेकळीसाण आनी संवसारीकरण ह्या धोरणांचो स्विकार. फाटल्या शेंकड्याच्या दुसऱ्या अर्दाचे अखेरेक परवाने दिवपाच्या राज्याची कास सोडून अर्थीक सुधारणा केल्ल्यान ती जाली. अर्थीक

सुधारणांची ही प्रक्रिया फकत राजकी इत्साशक्त आनी अर्थीक दूरदृश्टी हांकां लागून तेन्ना जाली तरी थारायिल्ले अखेरचे परिणाम मेळोवपा खातीर जायतें करपाची अजुनूय गरज आसा. ते दिशेन कृती गतीन घडूंक फावो. कारण वेळ उणो आसा.

देखून 'आसपावीत वाडी'चे कल्पने कडली आमची बांदिलकी परतून घट करूंक जाय. हे खातीर आमचे अर्थवेवस्थेक धरून कार्यकृतीची जापसालदारकी हांचो नियाळ करून तांचें नुतनीकरण करपाची दूरदृश्टी गरजेची. आमचे अर्थवेवस्थेचे स्थितीचो नियाळ करतना करप्रणालेचोय म्हत्वाचो विशय सोंपो आनी अडचणींतल्यान मेकळो करपा खातीर यत्न करूंक जाय. देखून धोरणां आंखप आनी अदमासपत्रक करप हांकां आमचे भक्कम बांदिलके वरवीं पवित्र प्रतिज्ञेचें रूप मेळोवंक आमी पुरायेन वावरूंक जाय. अर्थवेवस्थेची वाड फावो तशी जायत जाल्यार भौशीक कल्याणाची हातासणी अदीक सयुक्तीक जातली. आनी हें सगलें करतना भौसाक वांटेकार करून घेतले बगर फकत कडांचेर खुटखुटायल्यार कितेंच हाताक लागचें ना हें समजप सामकें म्हत्वाचें.

●●●



# 7. शेणिल्लें वैभव मेळयतना...

आमची लोकशाय सांबाळून दवरपा खातीर आमची संयुक्त बांदावळ बळिश्ट करूंक जाय. संघप्रदेशांतल्या आमच्या राज्यांक तांचे स्वताचे विशय आनी अडचणी सोडोवच्यो पडटात. सत्तेचीं परिमाणां जाग्यार घालपाक आमच्या देशाक अर्थशास्त्र, सुरक्षा, साधनसामग्री, शिक्षण, भलायकी, मनीस संसाधन विकास, पर्यावरणाची जतनाय, न्याय दिवपाचे पद्दतींत सुधारणा आनी प्रशासकी सुधारणा ह्या णव क्षेत्रांचेर लक्ष केंद्रीत करचें पडटलें.

एक बरो आनी बळिश्ट फुडारी घडणुकांचेर नियंत्रण दवरता आनी दुबळो तांकां बळी पडटा. सावध आसप बरें पूण अती सावध आसल्यार भौशीक प्रशासनाक आर जावं येता. फुडाराच्यो आंखण्यो करतना आदर्शवाद आनी वेव्हारवाद हे समानतायेन भरसल्ले आसप गरजेचें.

खंयचीय संस्था म्हणल्यार फकत इमारतीच्यो वणटी न्हय

जाल्यार बऱ्यो पद्दती आनी संवेदनशील प्रक्रिया आपणावन कार्य करपी यंत्रणा आसपाक जाय. कसलोय भौशीक प्रकल्प कल्पनेंत आनी कारवायेंत हाडपांत निर्धार आनी धिटाय नासत जाल्यार परिणाम म्हणून फकत सर्वेक्षणां, चर्चा आनी संशोधन पंगड इतलेंच दिसतलें, जाका मागीर कांयच अर्थ आसना. देशांत साधनसामग्रेचीं सोंपेपणां पसरावपाक एक धोरण आंखून तें पारदर्शकतायेन चालीक लावप भोव गरजेचें. साधनसामग्रेच्या सोंपेपणांनी असमानताय आसल्यार लोकांचेर दबाव येता आनी तांचे जिणेंत बादा उपरासता. ह्या विशयाक हाताळपाक सर्वांगी आनी दीर्घ काळाची येवजण लागता. मोटवे नदरेच्या, गोडगुलाबी, बेगडी राजकी चर्चेंतल्यान आनी घोशणांनी तो प्रस्न सोडोवं नजं आनी सुटूंय नजं.

आमी मेकळेपणाचे आनी संवसारीकरणाचे कल्पनेक येवकार दिल्लो आसलो तरी आमी अजून आमची मानसीकताय हे कल्पने कडेन पूर्णपणान जुळोवन घेवंक ना. ताका लागून कांय म्हत्वाचे निर्णय घेवपांत आनी विवीध लावांचीं धोरणां चालीक लावपांत आडखळी येतात.

हालींच्या काळांतल्या घडणुकांतल्यान विवीध कारणां मुखार आयिल्ल्यान सध्याच्या राजकारणाच्यो कांय पद्दतींनी नितीमत्तेच्यो वादऱ्यो करून सोडल्यात ताचें दुख्ख भोगता. हे कल्पनेन मतदारांक राजकारणा कडेन कांय प्रमाणान दुबावान पळोवपाची जी संवय लागल्या ती बदलूंक जाय. भौशीक प्रशासनाचे बांदावळीक जैसे थे स्थितीची कल्पना पूर्णपणान मारक थारूं येता. वायट घडणुको

घडूंक लागतकच केन्नाय जैसे थे स्थिती सांबाळपांत आमी धन्यताय मानतात, पूण खरेपणान तें फकत भविश्यांत घडपी एका अरिश्टाक आधार आनी तेंको दिता.

देखून, सुशासनाचें जैत जावपाक सर्वसाधारण व्यक्ती वयलो, शिक्षण, भलायकी, साधनसुविधा आनी नागरी पुरवण हांचे वयलो सरकारी खर्च जायत्या पटींनी वाडोवप गरजेचें दिसता. खर्चांतली ही वाड एके पारदर्शक यंत्रणे वरवीं चालीक लागतली हेंय पळोवप गरजेचें. हो विचार चालीक लावपाक निर्णय धिटायेन घेवंक जाय हातूंत दुबाव ना. अशीं पावलां मारिल्ल्यान अर्थवेवस्थेचे वाडी खातीर एक चड बरी आनी लावदायक गुंतवणुकीची हवा निर्माण जातली.

अर्थीक कृतीचे फावोशे वाडीक पोसवण दिवपा खातीर भलायकेवंत वातावरण निर्माण करून ताका उर्बा दिवपाक जाय. हातूंत असमर्थताय आयली जाल्यार जागतीक मळार राष्ट्राची अर्थीक घटसाण मुखार व्हरपांत आडखळ येवं येता. वाडींतली मंदी आनी म्हारगाय ह्यो बेचैनी हाडपी गजालीय ताकतिकेन हाताळूंक फावो. ह्या दोनूय लक्षणांनी देशाचें खूब लुकसाण केलां. ह्यो अस्वस्थतायेच्यो गजाली आमचे प्रशासकी यंत्रणेन कठोरपणान हाताळपाचो वेळ आयला.

राष्ट्राचे प्रगतीची मोख साधपा खातीर आमी आमच्या प्रशासकी संस्थांक अदीक जापसालदार धरूंक जाय. ज्या यंत्रणां सकयल त्यो काम करतात तांकां चड परिणामकारक करूंक जाय. ह्यो संस्था प्रशासनाच्या वज्या पोंदा चिड्डत वा आमी तांकां सबळीकरणाचो

अधिकार दिनासतना रावत जाल्यार तांचे कडल्यान दर्जेदार कामाची अपेक्षा आमच्यांनी करूं नजं.

राजकारणाचें शेणिल्लें वैभव परतून मेळोवपाक आमी प्रामाणीकपणान भायर सरतात जाल्यार आमच्यांनी योग्य पावलां उबारिनासतना रावूं नजं. आमकां वस्तुस्थिती खबर आसा आनी उच्च पांवड्यार कांय तत्वहीण आनी नितीभ्रश्ट मनीस बसल्यार ह्या संस्थांक धगाचो जो दाग लागतलो तो खरवडावन उडोवंक वावुरचें पडटलें. आमच्या सध्याच्या राजकारणाचो विस्वास दवरपाच्या प्रमाणाचो सगल्यांत उणाक आंकडो गणितांत खंयच मेळना अशी मस्करी जायते जाण करतात. आमकां भ्रश्ट कोण तें खबर आसा. तरीय आसतना कांय जाणांक आमी परतून वेंचून हाडटात. अशें घडिल्ल्यान ही कृती तांकां आनीक धनाची रास एकठावपाक कायद्याचें फाटबळ मेळटा अशें ते समजतात.

ह्या देशाचे राज्यवेवस्थेच्या इतिहासांत समाजवादी सरकारांनी देशाच्या सर्वसाधारण मनशाचो सोडवणदार म्हणून नांव मेळयलें हो इतिहास. पूण आतांच्या कांय सरकारांचें काम पळोवन जायते लोक दुर्दैवान म्हणटात, खंयचेय गजालींत जातूंत सरकाराचो सहभाग आसता ती गजाल पिड्ड्यार आनी निर्फळ जावपाची चड शक्यताय आसता. जातूंत सरकारी हस्तक्षेप शुन्य वा उण्यांत उणो आसता त्या अर्थीक क्षेत्रांत प्रगतीचीं व्हड धेंपां मारिल्लीं पळोवंक मेळटात, अशेंय लोक म्हणटात. मात अशें लोक कित्याक म्हणटात तें आमकां समजूंक जाय.

सर्वांगी आनी आसपावपी विकासा वटयां वचपी धोरणां निर्मुपाक आमच्या राजकारण्यांनी लोकशायेचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय. सत्यतायेंत आमी चिंतून कितल्या जाणांचें जिवन प्रत्यक्ष बदल्लां आनी त्या बदलाचो रासवळ जिणेंत कितलो प्रभाव पडला हे गजालीचेर सगली प्रशासकी कार्यावळ निंबून आसता.

आमच्या देशाचो विकास आनी प्रगती साधपाक अर्थीक तासांचेर सर्वांगी विचारमंथन म्हत्वाचें. अर्थीक मळार एक चुकीच्या, चुकीचो अर्थ लायिल्ल्या वा विपर्यास केल्ल्या पावलाक लागून आमचे अर्थवेवस्थेचे गतीचें ल्हार मदींच फोडून उडोवं येता. आमचे राज्यवेवस्थेचो सगल्यांत सकयलो बुन्यादीचो फातर म्हणल्यार आमचें चलन. संवसारांतल्या हेर चलनां आड रुपयाचें मोल आमचे अर्थवेवस्थेची घटाय थारायता आनी दाखयता. रुपयाक आंतरराष्ट्रीय मळार आशिल्लें मोल आमच्या राष्ट्राची शान. नागरिकांच्यान कितें विकतें घेवं येता आनी तांच्यांनी दुडू कसो मोडूं येता हें रुपयाचें मोल थारायता. रुपयाचो आनी ताचेर जावपी परिणाम ही बाब सरकारांक चिंतेची थारूंक जाय. आमच्या राष्ट्राच्या दुस्मानां कडल्यान देशाचे तांकीच्या ह्या खांब्याचेर हल्लो जाल्ल्याचें इतिहासांत नोंद आसा ही गंभीर गजाल. बनावट चलनाची जप्ती ही बनावट चलन निर्माण आनी उत्पादीत जाता हाची दर्शक. हाचेर खर पावलां उखलूंक जाय. ह्या अर्थीक आतंकावादा कडेन आमच्या देशाक व्हड लुकसाण आनी हानी करपाची तांक आसा. चलनाच्या बनावटीकरणान बनावट नोटी निर्माण जायत, पूण आमचे अर्थवेवस्थेचे भलायकेचेर जाल्ले ताचे

परिणाम स्पश्ट जाणवतात. अर्थीक आतंकवादाचे हे पिडे कडेन दोन हात करपाक एक आंतरराष्ट्रीय समन्वयक जाळें उबारपाचें पावलूय मारूंक जाय.

भारतांत घुंवळी वखदांच्या गैरवापराची वाडटी समस्या ही बेचैनी आनीक वाडयता. कायद्याची कडक अंमलबजावणी करून आमच्यो पिळग्यो तातूंत ओडच्यो नात हाची खात्री करप गरजेचें. आमच्या तरणाट्यां भितर मुल्यवर्धनाचो सराव बिंबोवप म्हत्वाचें जालां. हें शाळेच्या पांवड्यार जावंक जाय. हातूंतल्यानूच बरी शाळा निर्माण जावंक जाय, जिका लागून बरी शिकवण आनी बरी सल्लोमसलत जावंक पावतली. दर विद्यार्थ्याची योग्य दिशेन वाड जावपाक शिक्षणाचीं व्यक्तीगत शिकोवपाचीं तंत्रां आपणावचीं पडटलीं.

सुधारणे खातीर आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेचो आनीक एक खांबो म्हणल्यार न्यायवेवस्था. सत्याचें आनी फकत सत्याचें जैत जाता अशे तरेचे पारदर्शक आनी जापसालदार न्यायवेवस्थेची पोसवण जी आमचे घटनेंत आयल्या ती करूंक जाय. प्रकरणां हुमकळटीं उरनासपाक आनी तीं सोंपोवपाक आनी सगल्या पांवड्यांचेर परिणामकारक न्याय मेळपा खातीर सर्वांगी सुधारणा जाय. 'न्याय फकत दिल्लो आसूंक जायना तर दिला अशें दिसूंक फावो' हे पोरणे म्हणीक मान दिवंक जाय.

आमी आमचे लोकशाय प्रक्रियेंत वांटो घेवंक जाय. आमी वेगळ्यावेगळ्या वेळांचेर आनी परिस्थितींनी आमचे लोकशायेचें कारबारी तासूय पळयलां. आमचे लोकशाय प्रक्रियेंतल्यान कांय

वेळार कार्यक्षमताये खातिरूच वळखून येवपी मनिसूच वेंचून आयल्यात अशें न्हय तर कांय वेळार लोकशायेन विवीध कारणां खातीर विवीध तरांचे फुडारी वेंचून आयिल्ले आमी पळयल्यात. भौशीक प्रशासना वटेन कार्यक्षम आनी प्रामाणीक लोक गाळून आनी ओडून येतात आनी निवडून येतात हाची खात्री करपी एक यंत्रणा जाय. प्रशासनांत जापसालदारकी येवची म्हणून आमी नेट लावंक जाय. कारण, तातूंतल्यान जापसालदारकेची खात्री करपी जापसालदार लोक आसात हें आमकां कळटलें. देशाच्या लोकांच्यो खरेल्यो आशा आकांक्षा पूर्ण जावपाक आमकां वेंचणुकांतल्योय सुधारणा गरजेन जाय.

सत्तेची कल्पना म्हणल्यार मनमानेंपण आनी पक्षपात अशे पद्दतीची वळख मेळप योग्य न्हय. कांय वेळार दुसऱ्याचेर शेक गाजोवपाचें पिशें आशिल्ल्या राजकारण्यांचे प्रकार उत्पन्न जावन जायत्या कारणांक आनी परिस्थितींक लागून असले तरेचो पंगतीभेद जितो उरला. सत्ते कडेन एका न्हयकारी अर्थान पळोवप ही गजाल जी आमकां वस्तुस्थितींतल्यान जाणून येता ते गजालीचेरूय बरे पद्दतीन नियाळ करचो पडटलो, जातूंतल्यान सत्ता म्हणजे लोकांची सेवा करपाची संद ह्या ध्येयाक आमी पोसवण दिवची पडटली.

●●●



# 8. लोकशायेंत नागरिकांची भुमिका

आमचे लोकशायेचें आनी राज्यवेवस्थेचें शेणिल्लें वैभव परतून मेळोवपाच्या सोदांत आमच्या नागरिकांची भुमिका अत्यावश्यक थारता. आज देश जे परिस्थितींतल्यान वता तातूंतल्या आव्हानांतल्यान भायर सरपाक आमच्या नागरिकांची खर इत्सा आनी पवित्र निर्धार हांचे वरवींच देशाचें येरें योग्य दिशेन व्हरूंक मेळटलें. ह्या संदर्भांत फॅलिक्स फ्रँकफर्टराचीं उतरां म्हाका याद जातात, ताणें म्हणिल्लें – 'लोकशायेंत कश्ट आसात – दरेका नागरिकाचे अथक जापसालदारकेचे कश्ट. लोकशायेची खऱ्या अर्थान पसवण जावंक जाय जाल्यार सगल्या नागरिकांनी रासवळ जिणेंत सतत आनी विचारी वांटो घेवंक फावो. लोकशाय ही सदांच मार्गदर्शक मोख; सुरक्षीत बंदर न्हय. कारण, स्वातंत्र्य हो सतत प्रयत्न; केन्नाच अखेरचें साध्य न्हय. देखून, नागरीक जावपा परस देशांतलो खंयचोच हुद्दो चड म्हत्वाचो न्हय.'

हो विचार आमचे भितर रिगपाक आनी घोळपाक जाय. आमचे लोकशायेचे कल्पनेंत खोल मुळां धरिल्ले आदर्श पळोवंक मेळूंक जाय जाल्यार ह्या पवित्र कर्तव्याक आमी सामको मुळावो गूण मानून पाळो दिवंक जाय. ज्यो कांय घडणुको घडटात तातूंतल्यान आमच्या प्रशासनाक योग्य ती शिकवण मेळपाक जाय.

आमकां फावता ताचे परस बरे राज्यकर्ते मेळचे नात ह्या सत्यांत लोकशायेची सोबीतकाय लिपल्या. ही पवित्र प्रतिज्ञा आसली तरी, लोकांनी सतत आनी कार्यरत जावन वांटो घेतले बगर लोकशायेंत एक थीर सकारात्मक बदल जावप अशक्यूच. लोक आस्थाहीण जावप हें वायट सरकार चलपाचें एकूच कारण. लोकशाय हो प्रेक्षकांनी पळोवपाचो खेळ न्हय. फकत वेंचणुकां वेळार मतां दिवपा पुरतोच नागरिकांचो लोकशायेंतलो वांटो नासता पूण मत दितकचूय  सातत्यान लोकशायेंत पूर्णपणान वांटो घेवन लोकशायेची सोबाय वाडोवप ह्या नागरिकांच्या कर्तव्याचेर आमची घटना भर दिता.

ह्यो घडणुको संदेश दितात आनी ते संदेश स्मरून घेवन प्रशासनान वाटचाल करपाक जाय. तेन्नाच योग्य त्यो सुदारणा घडून येतल्यो आनी वाटचाल लोकांच्या हितान जातली हातूंत दुबाव ना. देखीक जेन्ना सरकारी हॉस्पिटलांच्या उणावा खातीर वा दोतोर नाशिल्ल्यांन वा वखदां नाशिल्ल्यान वा एम्बुलन्स मेळूंक नाशिल्ल्यान कोणाकूय मरण येता तेन्ना ही वायट गजाल संवेदनशील सरकाराक शिटकावणी आसता. हे घडणुकेंतल्यान

सरकारान सुस्त बसूंक फावो ना. खंयच्याय कोनशाच्या गांवांत लेगीत अशी घडणूक घडली जाल्यार सत्तेर आशिल्ल्या सरकाराक ती सामकी लजेची गजाल. म्हणून अश्यो घडणुको घडटकूच फावो ती पद्‌दतशीर कृती प्रशासनान तडीक लावपाक जाय. आनी हें दुर्दैवी मरण ‘आनीक एक मरण’ हे नदरेन पळोवपाक जायना.

आमच्या प्रशासनान अश्या मरणांच्या आंकड्या कडेन पळयता आसतना भावना जागृत दवरूंक जाय. जाका लागून फुडारांत सुधारणा जावंक जाय. नागरीक म्हणून आमी असल्या दुख्खदिण्या घडणुकांचेर आवाज काडून सरकाराक योग्य ते उपाय घेवपाक धुकलूंक जाय, आनी आमी जेन्ना आमचो स्वार्थ कडेक दवरतले तेन्नाच हें घडपाक पावतलें.

वेंचणुको ह्यो लोकशायेंतले उत्सव. आमच्या लोकशायी राज्यवेवस्थेच्या वेगळ्यावेगळ्या पांवड्यांचेर वेगळ्योवेगळ्यो वेंचणुको जातात. आमचें संविधान दर एका नागरिकाक मतदानाचो अधिकार दिता. आदले प्रधानमंत्री स. राजीव गांधी हांचे सुचोवणेन 1989 वर्सा संविधानाचे 61वे दुरुस्ते वरवीं संसदेन भारतीय नागरिकांचो मताचो अधिकार 21 वर्सां वयल्यान 18 वर्सांचेर हाडलो. तरणाट्यांक आपूण लोकसंख्येंतलो एक बळिश्ट घटक म्हणपाचें जाणोवन दिवन तांकां बळगें दिवपी हें एक दूरदृश्टीचें पावल आशिल्लें. संविधानांत सांगिल्ले प्रमाणें, जो योग्य भुमिका वठोवन कर्तव्यां पार पाडटलो अशें नागरिकाक दिसता ताका वेंचपाचें कार्य दर एका नागरिकान करचें, असोच वेंचणुकेचो अर्थ.

वेंचणुको उमेदीन आनी सकारात्मकतायेन भरिल्ल्यो आसूंक जाय आनी तांणी वेंचून येवंक सोदतल्यो व्यक्ती चालीक लायतल्यो अश्या कार्यावळींचेर आनी धोरणांचेर उर्बेवंत चर्चा घडोवन हाडूंक जाय. एरिस्टोटलान म्हणिल्लें – 'सत्ता मनशाक भ्रश्ट करता आनी सर्वसत्तावाद पूर्ण भ्रश्ट करता.' पूण दुर्दैवान हालींच्या काळांत एक वेगळी कल्पना समाजांत मूळ धरूंक लागल्या, अशें मत कांय टिकाकार उकतायतात. ते म्हणटात ते प्रमाणें सत्ता फकत भ्रश्ट करिना तर, भ्रश्ट जावंक सोदतल्यांक ओडून हाडटा. हो विचार रिगप हें लोकशायेक मारक आनी म्हणून तो लोकशायी राज्यवेवस्थेचें लुकसाण करतलो. हें उलोवपी टिकाकारांक आमी ते चुकतात अशें दाखोवचेंच पडटलें.

'सगल्या म्हान कर्तुबांची सुरवात एके कल्पनेंत आसता' ह्या नेपोलियनाच्या उतरांची हांगा याद जाता. आमच्यांनी अजून तो बदल घडोवं येता ही आस्त मुखार व्हरपी वेव्हारीक चैतन्याची नागरिकांनी पोसवण करूंक जाय. 42वे संविधानीक दुरुस्ते वरवीं 1976त संविधानान घाल्लीं कर्तव्यां आमच्या रगतांत रिगूंक जाय. तातूंतल्या प्रमाणां आनी सिद्धांतां पलतडीय नागरिकत्वाची जापसालदारकी संविधानाच्या जैताची खात्री करतली हें आमकां उमजूंक जाय. आमी संविधानाक आमचें मानसीक प्रामाणीकपण ओंपूंक जाय. संविधानांतल्या उद्दिश्टांचें कृतींत रुपांतर करपाच्या कामांत आमी नागरीक म्हणून पूर्ण विस्वासान वांटो घेवंक फावो. म्हणून संविधानांत आशिल्ल्यो मोखी साध्य करपाक नागरिकांनी

तशेंच आमच्या राजकारण्यांनी सतत प्रयत्न करपाक जाय.

आमचे लोक सध्याचें राजकारण लागींच्यान तेळटात. आनी ताचे विशीं आपलें मत घट करतात. प्रत्येक युवा भारतीय मतदाराच्या मनाक आमचे लोकशायेचो अभिमान दिसूंक जाय. आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेन वेंचून आयिल्ल्यांचेर खर जापसालदारकी लादूंक जाय. तशेंच मतदारांनी तांचेर सगलो वेळ नदर दवरून तांकां मार्गदर्शन करूंक जाय, जाका लागून तांची आनीक बरे पद्दतीन कार्यकीर्त जावपाक आनी ताचे वरवीं लोकांचे मुलभूत प्रस्न सुटावे जावपाक आदार जातलो. आमच्या नागरिकांनी धिटायेन समजुचें पडटलें की व्हड फरक करपाचे नदरेन जेन्ना ते समाजांत पावलां मारतात तेन्ना दीसपट्ट्या गजालींनी ल्हान ल्हान गजालींतल्यानूय तांचे कृतींतल्यान सुदारणेचे नदरेन एक मोठो हातभार लागूं येता. कारण हे ल्हानल्हान फरक एकठांय जावनूच तो व्हड फरक निर्माण जावपाक पावतलो.

राजकारणाची व्याख्या परतून करपाचो आनी ताचें व्हडपण ताका मेळोवन दिवपाचो वेळ आयला. लोकशाय ही लोकांची, लोकां खातीर आनी लोकांनी चलयिल्ली सत्ता अशें जावंक फावो. हें एक विचारप्रणाली म्हणून बरें दिसूं येता, पूण आमच्या संविधानांत सांगिल्ले प्रमाणें प्रशासनाच्या आदर्शांक घट्ट दसून रावतना आमी ती तंतोतंतपणान आपणावपाक जे कश्ट घेतले तातूंत तिची सुंदरकाय आसा. वायट वृत्तीच्या लोकांचो निमाणो आलाशिरो हे कांय लोक वापरतात ते राजकारणाचे व्याख्येंतल्यान

मेकळी करून ताका प्रशासनाचें शास्त्र म्हणून नवी व्याख्या दिवंक जाय. राजकारणाच्या कांय वायट वृत्तींनी आमच्या नागरिकांचेर आरीच्या झटक्याचो एक खर परिणाम केला. देखून, त्या पवित्र शास्त्राक तारपा खातीर आमी सगल्या नेटान आनी प्रामाणीकपणान यत्न करूंक जाय. राजकारण म्हणजे लोकहीत घडोवपाचें साधन आनी ही वळख आमी नागरिकां मदीं फांकारपाक जाय.

आमी राजकारणाच्या शास्त्राक तारतनाच आमचें संविधान सत्ते वयल्या सरकाराक जी धर्मनिरपेक्ष नदर उखलून धरपाचो, सांबाळपाचो आनी तिची हमी दिवपाचो आदेश दिता ती नदरे आड करूंक फावो ना. धर्मनिरपेक्षताय ही सगल्या 'तायां' परस चड तिगल्या. जरी जायत्या संदीसादू राजकी घटकांनी तिका नखलामी करपाचो अयशस्वी यत्न केलो तरी भारतांत धर्मनिरपेक्षताय राज्याचें संविधानान पवित्र केल्लें ध्येय आसा ही सिद्धी आमी सांबाळून तिका पोसवण दिवंक जाय. आमचे लोकशायेच्या जैताची खात्री ही आमच्या धर्मनिरपेक्ष सिद्धांताचो सांबाळ करपाचे अथ्रेकणेक लागून जातली.

नागरिकांक भौशीक प्रशासनांत वांटेकार जावंक दिवपांतल्यान शासन आनी भौशीक प्रशासन अदीक बरें जावं येता. सुशासना वटयां वचपाची वाट मेकळी करपाची तांक सामुदायीक निर्णय घेवप आनी वांटेकार जावपाचो निर्णय घेवप हांचेर निंबून आसा. सबळीकरणाचो फकत राजकी नदरेनूच वापर न्हय तर सरकाराचे कार्यपद्दतींतल्यान जावन लोकां मेरेन ताचे परिणाम पावून सगल्या

घटकांचें सशक्तीकरण जावपाक सरकारान पावलां मारपाक जाय. आनीक असबळीकरण केल्यार आमची राज्यवेवस्था उरफाटे दिशेन वचून तिची परागती जातली.

आमचें राजकारण विरोधाभासांनी भरिल्लें आसलें तरी, निर्णय घेवपाचे प्रक्रियेंत लोकाचो सतत वांटो आनी आसपाव आसत जाल्यार प्रशासनाचे संस्थेंत अदीक विस्वास आनी विस्वासपात्रताय येतली. जापसालदारक्यो सांबाळटना आनी कर्तव्यां निभायतना आमी योग्य ती कृती करपाक जाय. नागरीक म्हणून चुकी करप आनी दोशांच्यो आडखळी येवप सैमीक आसूं येता, पूण आमी चुकी सुधारपाक लजूंक फावो ना.

संवसारांतल्या सगल्या लोकशायां खातीर आमचे लोकशायेक मूळ उगम आनी उर्बा म्हणून तिका तिची मानाची सुवात मेळूंक जाय आनी ती तिका फावता. तरी आसतना हो हावेस आमच्या आदर्शांनी रिगला म्हणून हालींचे सगले कल आनी घडणुको मतींत घेतल्यार आमचे लोकशायेचीं सगलीं म्हत्वाचीं स्थानां आनी तासां सांबाळपाची आनी वेंगावपाची खात्री करूंक जाय.

देशांत जी लोकशाय नंदता ती स्वातंत्र्य देवतेच्या मंदिरांत बळी गेल्ल्या हुतात्म्यांच्या रगताक लागून, आनी आमी ती सासणा खातीर सांबाळूंक जाय. म्हणून त्या त्यागाक आमी सदांकाळ स्मरपाक जाय आनी उज्वल भवितव्य घडोवपा खातीर लोकहिताचे मंत्र आमी जपपाक जाय.

आमच्यांनी आदर्शांचो आनी मुल्यांचो असो ऱ्हास जाल्लो

मोन्यांनी पळोवं नजं. दर खेपे जेन्ना लोकशायेचेर हल्लो वा तिची मानहानी जाता तेन्ना जी जी कृती वा कार्य तिका सांबाळपाक गरजेचें तें तें आमी करूंक जाय. आमी त्या कर्तव्याक चुकले जाल्यार भलायकेवंत लोकशायेचे वाडीक ती गजाल सारकी न्हय. महाभारतांतली एक देख आधारा खातीर घेवप उचीत जातलें. द्रौपदीच्या वस्त्रहरणा वेळार एका पंगडान ती कृती करपाचो आदेश दिलो; दुसऱ्या पंगडान ते नश्टे करणेक जेल दिलें, जाल्यार तिसऱ्यान कांयच केलें ना. हाचेर युधिष्टीरान पयल्या पंगडाक खर ख्यास्त दिली आनी हेर दोगांकूय तितलीच खर ख्यास्त दिली. हातूंतल्यान आमी हे देखी कडेन पावतात की, जे फकत उबे रावून कांयच करिनात तेय तितलेच दोशी आसतात.

आमचें राष्ट्र स्थापन करपी वडील 'बांदिलकी आनी सेवा' ह्यो गजाली नदरे मुखार दवरून रासवळ जिणेंत भितर सरिल्लें हें उद्दिश्ट आमचे मुखार आसा. राजकारणांत आशिल्ल्या दरेकल्यान ह्याच उद्दिश्टाक स्मरून आपलें कार्य घडोवचें पडटलें. राजकारणा कडेन सत्तेचें साधन म्हणून पळोवपाची ही वृत्तीच देशाक स्वातंत्र्य दिवपी त्या म्हान सुटकेझुजाऱ्यांचो अपमान.

राजकारणा कडेन सत्तेचो खेळ म्हणून पळोवपाचे नदरेचो संबंद 'आस आनी गर्व' ह्या गजालीं कडेन लावं येता, ज्यो दुर्दैवान आमच्या समाजांतले कांय नेते तेच तरेन वर्चस्व गाजयतात. ही गजाल म्हाका दलाय लामाच्या उतरांची याद करून दिता. तांणी म्हणलां – 'आस हो विनाशाचो स्त्रोत. मनीस जरी सगल्या

संवसाराचो धनी जालो तरी ताका चंद्रार जमीन विकती घेनशें दिसतलें.’ आमच्या सुटकेझुजाऱ्यांक आनी हुतात्म्यांक भोवमान दिवपाचो आसत जाल्यार आमी तांच्या ध्येयाक मान दिवन योग्य ती वाटचाल करची पडटली.

●●●



# 9. आमचें उद्‌दिश्ट

सत्ताधाऱ्यां कडल्यान नागरिकांच्यो अपेक्षा म्हणल्यार लोकांच्यो समस्या उणावपा खातीर पावलां मारप आनी तांकां अदीक बऱ्यो नागरी सुविधा आनी भौशीक सोंपेपणां निर्माण करून दिवप. आमच्यो समस्या पुरायेन हाताळून तांचेर तोडगो काडप भोव गरजेचें. आमी राजकारण्यांक नागरिकांच्या अपेक्षांक बांदून दवरूंक फावो. हाचो दुसरो अर्थ असो, लोकांच्या अपेक्षांक पूर्णपणान मान दिवपा खातीर आनी ते दिशेन वाटचाल करपा खातीर आमी राजकारण्यांक सतत जबाबदार धरपाक जाय.

नागरिकांच्यो मागण्यो ह्योच सगल्या घटकांचे हावेस. त्यो प्रशासना मुखार वेळावेळार मांडूंक जाय, जाका लागून सरकार आमच्या सपनांतल्या भारताची निर्मणी करपाक बांदील उरतलें. आमकां मतदारांक आमी कितें सोदतात ताची खात्री आसा. सर्वसादारण भारतीय जेन्ना मतदान केंद्राचे कुडींत पावल दवरता तेन्ना ताका घटनेन दिल्ल्या ह्या मताच्या ब्रह्मास्त्राचे शक्तीचो भास

जाता आनी ह्या अल्प खिणाचो वापर कशे पद्दतीन करचो तें थारावन आपलें भवितव्य घडोवपाच्या निर्णयाचेर तो म्होर मारता. देखून घडये, निश्चीतताय म्हणल्यार अनिश्चीतताय हें एकूच कारण आसूं येता. म्हणून राजकारणांतलें रहस्य म्हणल्यार फुडारी इस्पिको धरून नासतात; त्यो मतदारां कडेन आसतात.

आमचें संविधान हें आमचे लोकशायेचें राखणदार आनी देशाच्या भविश्याचें अखेरचें लवाद. देखुनूच प्रस्तावनेंतलीं उतरां 'वी ध पिपल'. दर एका मत घडोवप्याक एक मत आसता ही आमचे लोकशायी राज्यवेवस्थेची वस्तुस्थिती. आमी एकमत साधचें पडटलें. देशाचो फुडार सगल्यांक सांगाताक घेवन आमकां घडोवचो पडटलो. उदरगतीच्या मळार पावलां मारता आसतना खंयच्याच घटकाक विसरूंक फावो ना. आमचे घटनेन प्रत्येक मनशाक समानताय भेटयल्या. अखेरेक आमी जातूंतल्यान आमची शक्ती मेळयतात ते विवीधतायेंत आमचे राज्यवेवस्थेच्या मुलतत्वांचें मूळ आसा तें आमी विसरूंक फावो ना.

विधानसभांच्या आनी संसदेच्या वेंचणुकांनी आसपी सगल्या उमेदवारांचेर आपली मालमत्ता, लागणुको आनी गुन्यांवकारी इतिहास हांची पवित्र घोशणा करची अशें बंधन सर्वोच्च न्यायालयान घालां. हें पावल निश्चीतपणान आमची राज्यवेवस्था पुरायेन निवळ करपा वटेन आसून आमच्या मतदारांक एके चड माहितगार पसंतीचें मार्गदर्शन मेळटा. राज्यवेवस्था नितळ करपाच्या आमच्या प्रयत्नांक असले आदेश दिशादर्शक उजवाडाचे झोत आसले तरी बऱ्या राजकारणा खातीरची मागणी आमी नागरिकांनी सतत करीत रावूंक जाय.

विधानसभेंत आनी संसदेंत पावपाक सोदपी जायते जाण वेंचणुकां आदीं सचोटी आनी सेवा हांचें उतर दितात. तरीय, जिखतकूच कांय जाणांक जैत तकलेक चडटा आनी जैतवंत अजिंक्यतायेच्या आनी सगळें आपल्या नांवार जाल्ल्याच्या सपनांनी ते बुडून वतात हें इतिहासांत जायते खेपे पळोवंक मेळ्ळां. नागरिकांक एक परिणामकारक, धर्मनिरपेक्ष, संवेदनशील, वांटेकार आनी प्रगतीशील प्रशासन इतलेंच जाय आसता. लोकशायी राज्यवेवस्थेंतल्यो ह्यो सगल्यांत साद्यो आनी खऱ्यो मागण्यो आसूं येतात ज्यो वेंचून आयिल्ल्यांनी विसरूंक फावो नात.

आमच्या कांय सरकारांच्या भांडवलदारी प्रवृत्तींक लागून गिरेस्त आनी गरीब हांचे मदली दरी रुंदावता तेन्ना लोक असल्या सरकारी धोरणां आड आपली तिडक उकतायतात. संविधानांत केल्ले समाजवादी प्रतिज्ञेचो आमच्या प्रशासनान फकत कागदार सोपूत घेवन जायना जाल्यार तिची प्रत्यक्ष कृती करूंक फावो.

नागरिकांनी राजकी मळार कृतीशील कार्य करपाचें टाळूंक जायना. अखेरेक, आमकां कसलें प्रशासन मेळचें हें राजकारण थारायता. भागिदारींतल्यान प्रशासन चलोवपाचे गरजेचें नागरिकांनी समर्थन करूंक जाय. मुळांत राजकारणाची मोख सत्ता जनमताच्या आधाराचेर प्राप्त करप हीच आसली तरीय हेत आनी पद्दत बरीं आसूंक जाय.

आमी नागरीक एका तिठ्यार पावल्यात. विनोदी पूण खरें, फटींगपणान मेळयिल्ल्या पयशान समाजांत आपणा खातीर मान मेळोवन घेतला अशा भ्रमांत खूब जाण, खास करून कांय नेतेगण

आसतात. जेन्ना आमी सत्तेचो गैरवापर करप्यांचेर कपलाच्यो शिरो ताणिनात, जेन्ना आमी राजकारणांतल्या आनी प्रशासनांतल्या भ्रश्टाचाराची निंदा करिनात, आनी जेन्ना आमचे मदल्या चडश्या जाणांनी लोकशायेंत परिणामकारक रितीन वांटो घेवंक ना वा वेंचून आयिल्ल्यांचो कारभार मोन्यांनी पळयत रावल्यात, तेन्ना आमचो समाज कुशेंस कुसपाचे घातकी कुरवे मेरेन पावला, अशें मानप चुकीचें न्हय अशें मत कांय जाण प्रगटायतात.

भारतमातेक वाटावपाक सोदतल्यां खातीर आनी फुडल्या पिळग्यां खातीर मुल्यांची पोसवण करप्यां खातीर घडये हो एक कुकारो. आमच्या समाजाचें बरेपण जतन करपा खातीर हाचेर विचार जावंक जाय. स्वामी विवेकानंदाचीं उतरां हांगा याद जातात, पयलो पाठ हो शिकूंक जाय, भायल्या कित्याकूच दोश दिवं नाकात. कोणाच भायल्याचेर आरोप करूं नाकात. पूण खंबीरपणान दोश तुमचेच तकलेर थापात. हें सदांच खरें आसता हें तुमकां कळटलें. तुमचें जिवन सुवादीन घेयात.'

नागरिकांचो वेंचणुकांनी आनीक चड कृतीशील वांटो आसचो अशें दिसलें तरी लोकशायेचें समीकरण फकत वेंचणुकां कडेन करप हो व्हड घात जातलो. संविधानांत सुचयिल्ले प्रमाण वेळावेळार आनी योग्य वेळार लोकशायेच्या विवीध पांवड्यां वयल्यो वेंचणुको सक्तीच्यो आसुनूय लोकशाय चलपाक हेर जायतीं तासां लागतात. घेतिल्ल्या दर एका निर्णयाक सरकाराक आनी प्रशासकी यंत्रणेक जापसालदार धरूंक जाय. आमची लोकशाय जी घटने वरवीं आमकां भेटयल्या तिचीं तासां भोव सुंदर आनी सोबीत आसात. आमच्या नागरिकांक

आमचे घटनेन हक्क तश्योच जापसालदारक्यो भेटयल्यात. आमचें सरकार लोकहितान कशें चलचें ह्योय मोखी आनी मार्गदर्शक तत्वां आमचे घटनेंत आसपावीत आसात. आमचें पर्यावरण सांबाळपाक आमची आर्थीक भलायकी सुधारपाक आमची आसपावीत वाड फुडें व्हरपाक आमचे सैमान भेटयिल्ले संपत्तीचो कशे पद्दतीन सांबाळ करप आनी हें सगलें करता आसतना आमी विकासशील कशे जावप ह्यो कांय गजाली विस्तारान घटनेन नोंद केल्ल्यो आसात. म्हणून ह्या सगल्या तत्वांची योग्य तरेन अंमलबजावणी जावप भोव गरजेचें. आमी बरो राजकारभार आपणावपाक सोदतात जाल्यार लोकशाय आनी राजकारण हें फकत राजकारण्यां कडेन सोंपोवपा पुरतें आसपाक जायना. दर एका नागरिकान ते दिशेन कृती केल्यार आमची लोकशाय आनिकूय फळटली आनी फुलतली हातूंत मात्तूय दुबाव ना. नामनेचे कायदेपंडीत नानी पालखीवालाचीं उतरां आमी याद धरूंक जाय. तांणी म्हणिल्लें, आमी भारतीय लोकांनी संविधान उबें करून, आपणावन तें आमकांच दिलें. आमी लोकूच ताचे राखणदार. आमी सरकाराक फकत करूच भरपाक जाय अशें न्हय तर वेळ आनी विचारूय दिवंक जाय.'

आमच्या सर्वसाधारण लोकां मदीं मुळांत तीन वर्ग आसात. पयले, समाज बदलपी जे सद्दां उठून संवसार बदलूंक सोदतात. दुसरे, लोकां कडल्यान उर्जा भायर आनी पयस व्हरपी शेणिल्ल्या आत्म्यां भशेन आसतात. ते तुमचे वांगडा बसतात आनी तुमचेर एक काळें कूप पसरायतात. तिसरे पद्दतीचे आसतात तांकां 'पाडसा वयले कुंवाळे' म्हणप योग्य जातलें. ते सामके मद्दीं बसतात आनी

तांकां सगले वापरतात. ‘आमी तत्वाक दसून उबे रावपाक जाय वा उबे रावपाकूच जायनात’ ह्या मार्गारिट थॅचराच्या जाणवायेच्या उतरांचो तांकां विसर पडटा.

जायते खेपे नागरी समाजान आनी लोकशायी माध्यमांनी कडक आनी समर्पक प्रस्न विचारल्यात आनी सत्ताधाऱ्यां कडल्यान जापोय मागल्यात. चडशे प्रस्न पारदर्शकताय आनी जापसालदारकी हांची खात्री करपी यंत्रणे विशीं आसतात. नागरिकांनी भारतीय राजकारणी वर्गाक आनी प्रशासकी यंत्रणेक जाप दिवपाचे जबाबदारेंत सदांकाळ बांदून दवरल्यात हें सत्य आसा. भारतीय लोक परिस्थितीचेर लागींच्यान आनी बारीक नदर दवरून आसात. सत्ते वयल्या तशेंच हेर राजकारण्यांनी समान प्रमाणान नागरिकां सांगातान काम करून देशाचें राजकारणाचें शेणिल्लें वैभव परतून मेळोवन दिवंक जाय.

नागरीक जापसालदारकी हातांत घेतात तेन्नाच खऱ्यांनीशीं लोकशायेच्या आनी तिच्या संस्थांच्या जैताची आनी सुशासनाची कथा सुरू जाता हें संवसारान पळयलां. समाजाच्या सगल्या थरांतल्या नागरिकांनी कृतिशीलपणान वांटेकार जावप हें भौशीक प्रशासनांत पारदर्शकताय आनी जापसालदारकी हाडपाचे नदरेन सामकें म्हत्वाचें.

ग्रामपंचायती, ग्रामसभा, नगरपालिका, जिल्लो पंचायती आनी 73व्या आनी 74व्या संविधानीक दुरुस्त्यांच्या पावित्र्यांत उपकारी आशिल्ल्यो सगल्यो थळाव्यो राज्यसंस्था बळकट करूंक जाय. त्या दुरुस्त्यांनी सांगिल्ल्या अधिकारांची सकयल्या पांवड्यार वांटणी आनी विकेंद्रीकरण करपाचे प्रामाणीक यत्न करूंक जाय.

देखून, सत्तेचे वांटणे कडेन संबंद आशिल्लीं समिकरणां घटनेच्या मोखीं प्रमाणें आंखून ते दिशेन वाटचाल करपाक जाय. विकेंद्रीकरण म्हणल्यार निर्णय सकयल्या पांवड्यार सुरू जावन वयल्या पांवड्यार पावप. थळाव्या स्वराज्य संस्थांच्या क्षेत्रांनी निर्णय घेवपांत प्रशासनांत वयल्या पांवड्यार आसप्यांनी लुडबूड करूंक फावो ना. बायलांक आनी समाजाच्या फाटसारिल्ल्या पंगडांक राजकारणांत, राजकारभारांत आनी राज्यवेवस्थेंत जापसालदार भुमिका करपांत सबळ करपाक जाय. विकेंद्रीकरण करप म्हणल्यार चर्चा करून भौशीक प्रकल्पांचेर एकमत तयार जातकूच सगल्या टप्प्यांचेर पारदर्शकतायेचें यूग हाडप. आमचो देश आनी राज्य प्रागतीक करपा वटेनची सुटकावाट फकत नागरिकां कडेन आसा आनी हो आदर्श मेळोवप आमचीं विकासाचीं परिमाणां तिगपी अशीं करपांत म्हत्वाचो.

जागृताय आनी माहिती पसरावपाचें नवें क्षेत्र म्हणल्यार समाजीक माध्यमां. तांणी नागरिकांक आपल्यो भावना आनी उमाळे उकतावपा खातीर आनी तातूंतल्यान रासवळ मत घडोवपा वटेन एक म्हत्वाची माची निर्माण केल्या. रासवळ हिताच्या आनी प्रशासनाच्या बाबींचेर नागरीक अदीक सुचक जावंक मुखार सरतात हे बरे प्रवृत्तीक समाजीक माध्यमां फाटबळ दितात. छापी आनी इलॅक्ट्रॉनीक माध्यमां सयत समाजीक माध्यमांनी फुडाराचेर परिणाम करपी अश्या म्हत्वाच्या विशयांचेर लोकजागृताय केल्या. प्रसार माध्यमां वांगडाच समाजीक माध्यमांनी लोकशायेंत म्हत्वाची भुमिका घेतल्या आनी जागृत नागरीकत्व निर्माण करपाचे दिशेन व्हड पावलां मारल्यांत. प्रसारमाध्यम हो लोकशायेचो एक म्हत्वाचो घटक आनी म्हणुनूच

ह्या घटकाक लोकशायेचो चवथो खांबो म्हणून मानतात. पयले तीन म्हणल्यार विधीमंडळ, कार्यपालिका आनी न्यायपालिका.

खंयच्याय देशाची वा राज्याची वाड आनी प्रगती ह्यो गजाली विवीध घडणुकांचो परिणाम हें समजप गरजेचें. ह्या यत्नांत दर नागरिकाचे भुमिकेचें देशाचे वाडींत म्हत्व आसता कारण, प्रगती आनी भरभराट जावपा खातीर दर नागरिकाची ताच्या ताच्या क्षेत्रांतले उत्कृश्टतायेक बांदिलकी एक गरजेचें परिमाण जाता.

एके पोरणे म्हणीची हांगा याद जाता – 'यंत्रणेचो वांटो आपूण जावन जावंक सोदिनासपी बुदवंत मनशाक ख्यास्त म्हणल्यार ताचेर मूर्ख मनशांनी राज्य करप.' देखून आमी राष्ट्राच्या वेव्हारांत सहभागी जावंकूच जाय. एक व्हड विचारवंत बॅन्जामीन फ्रँकलीन हांणी एकदां म्हणिल्लें, 'नेणार आसप ही लज, पूण सारके पद्दतीन काम करपाक तयार नासप ही ताच्याकूय व्हडली लज.' ह्या पोरण्या संदेशांचें शाणेपण आमी शिटकावणी म्हणून समजूंक जाय.

अर्थपूर्ण चर्चा जाले बगर आमच्या विधानसभांनी आनी संसदेंत विधेयकां पारीत जाल्यांत हें आमी पळयलां. संसद आनी विधानसभा हीं लोकशायेचीं देवळां, जातूंत चर्चे वरवीं मुद्देसूद विचार जावन कायदे पारीत करपाची मोख आसपाक जाय. पूण चर्चे बगर विधेयकां पारीत जातात असले परिस्थितींत आमच्या नागरिकांनी लोकप्रतिनिधींच्या कामाचेर विचार आनी चिंतन करूंक जाय. वेंचणुको लडोवपांत आमच्या लोकप्रतिनिधींचो खरो हेत हो फकत लोकसेवा आनी जनकल्याण आसपाक जाय. ह्या हुशारेच्या कामान लागिल्लीं कर्तव्यां पार पाडपांतले उदासीनतायेक माफी ना,

कारण राष्ट्राचो इतिहास परतून घुंवडावं नजं. गेल्लो काळ परतून येना. राष्ट्राच्या आनी राज्याच्या विकासांत आनी प्रगतींत आमी तीं पावलां मारचींच पडटलीं. अखेरेक, लोकशायेचें जैत नागरिकांक ह्या लोकशायी संस्थांनी तांचे हक्क दिवपाचे विधीमंडळीय तशेंच धोरणात्मक निर्णयांचे आनी कृतीचे तांकीचेर निंबून उरता.

आमच्या राष्ट्रा मुखार कांय मुद्दे आसात. आमचे उदरगतीक फाटीं ओडपी कांय प्रस्नूय आसात. ह्यो गजाली योग्य पद्दतीन सोडोवपाक जाय आनी तें करपाक योग्य तीं पावलां मारपाक जाय. कोंसियेंस आशिल्ल्या नागरिकांनी शांततायेन आनी निरशेणेंत मख्ख उबे रावप हो उपाय न्हय. अखेरेक बारीकबारीक प्रस्न हाताळीत जाल्यार तातूंतल्यान मोटो सुदार जावं येता हें आमी विसरूंक फावो ना. आमचे जागरूक नागरीक जे भोवसंख्येन आसात ते लोकशायी आदर्श मेळोवपा खातीर सतत काम करतले हातूंत म्हाका मात्तूय दुबाव वा हुसको ना. ‘आमकां पळोवंक जाय तो बदल आमीच जावंक जाय’ अशें राष्ट्रपिता महात्मा गांधीन म्हणिल्लें तें आमी विसरूंक फावो ना.

कामाच्या सगळ्या क्षेत्रांनी काम आनी कामगार हांचे मदीं थेट नातें आसा. कामाचो दर्जो आनी कामगाराचो दर्जो वेगळावं नजं. हीच गजाल राजकारणाकूय लागू जाता. देखून, कोंसियेंस आशिल्ल्यांनी राजकारणांत आनी प्रशासनांत देंवून आपणाक पळयन दिसता तो बदल घडोवन हाडूंक जाय. नामनेचे विचारवंत एडमण्ड बुर्क हांचें सांगणें हांगा दिवप योग्य थारतलें – ‘वायटाची भरभराट जावपाक बऱ्यांनी कांयच करिनासतना रावचें.’

शेक्सपियरानूय म्हणिल्लें –

''दुस्मान दीसपट्टो वाडटा,

उंचाये वयल्यान देंवपाक तयार,

मनशांच्या वेव्हारांत भरती – सुकती येता,

जी भरते वेळार भरभराटीक पावयता

सोडीत जाल्यार जिवनाची यात्रा

सवथळ वाठारांनी आनी विपत्तींनी बांदून उरता

आतां आमी अशे भरतेच्या दर्यांत उफेतात,

आनी ताका मेळटा तो प्रवाह आमी घेवंक जाय

वा आमच्यो जोखमी सोडच्यो पडटल्यो''.

भारता मुखार व्हड संद आसा. आमचे मुखार कांय आव्हानांय आसात. हीं आव्हानां आमी हाताळपाक जाय आनी संदींच्या मार्गान वाटचाल करून वाडीक उर्बा दिवपाक जाय. हें करता आसतना सुशासन, सबळीकरण आनी आसपावीत वाड ह्यो मोखी विसरपाक जायना. आमचे कडेन वगडावपा खातीर वेळ ना. आमचें राष्ट्र समृद्धीच्या मार्गार वचून परमशक्ती जावपाक जाय आनी ते दिशेन आमी दर एकान वावर करपाक जाय. ही मोख मेळोवपाक अर्दकुटीं पावलां मारून तेंगशी गांठप जमचें ना. देशाची उदरगत उंचेल्या पांवड्यार पावोवपाक प्रत्येक नागरिकाक घटनेन आंखिल्ली हमी आमी भेटोवची पडटली. ह्या देशाचें बरेपण आनी ताच्या कोट्यांनी मनशांच्यो आशा आनी आकांक्षा वळखून जेन्ना पूर्णतायेच्या

मार्गार व्हरपाक यशस्वी जातले तोच खरो भांगराळो खीण आमचे लोकशायेच्या जिवनांत नोंद जातलो हातूंत दुबाव ना.

हे म्हत्वाचे यात्रेंत आमी दर एकल्यान आमची भुमिका ‘ह्या म्हान देशाचो नागरीक’ म्हणून पवित्र कर्तव्य करप अत्यंत गरजेचें.

जय हिंद

●●●

लोकाभिमूख सुशासना वटेन... ।



आमच्या देशान स्वातंत्र्या सावन विकासाच्या जायत्या क्षेत्रांतले वाटचिरे गांठल्यात हें खरें आसलें तरी परमशक्ती राष्ट्र जावपाक आमी आनीक पावलां मारपाची गरज आसा. स्वातंत्र्याच्या शिल्पकारांचे धिटायेन आनी धाडसान आंखिल्ल्यो आनी घट केल्ल्यो संविधानाच्यो मोखी साधपा खातीर आमकां नागरीक म्हणून खर कृती करची पडटली. आमच्या संविधानीक आराखड्याच्या सक्तीच्या सांगाड्याक बांदील रावप ही आमची लागणूक.

लोकशाय ही एक अशी मांडावळ जातूंत नागरीक हेच खरे धनी आनी तेच राष्ट्राचो फुडार थारायतात. आमकां फावता ताचे परस बरे राज्यकर्ते मेळचे नात ह्या सत्यांत लोकशायेची सोबीतकाय लिपल्या. ही पवित्र प्रतिज्ञा आसली तरीय नागरिकांनी सतत आनी कार्यरत जावन वांटो घेतले बगर लोकशायेंत एक थीर सकारात्मक बदल जावप अशक्यूच. भारता मुखार व्हड संद आसा. आमी मुखार वाटचाल करून वाडीक उर्बा दिवपाक जाय. हें करता आसतना सुशासन, सबळीकरण आनी आसपावीत वाड ह्यो मोखी आमी मतींत दवरपाक जाय. ह्या देशाचें बरेपण आनी ताच्या कोट्यांनी मनशांच्यो आशा आनी आकांक्षा आमी वळखून जेन्ना पूर्णतायेच्या मार्गार व्हरपाक यशस्वी जातले तोच खरो भांगराळो खीण आमचे लोकशायेच्या जिवनांत नोंद जातलो अशें म्हणप योग्य जातलें. ह्या संदर्भांत जे विचार ह्या पुस्तकांत मांडपाचो यत्न केला ते वाचप्यांचे मतीक आनी कल्पनांक चालना दितले असो विस्वास आसा.

